# म्हादय अभयारण्य वाठारांत रावपी लोकांमदीं उप्रासिल्ल्या समस्यांचो सामाजीक, लोकसंस्कृतीक आनी पर्यावरणीय अभ्यास.

**(A socio-cultural and environmental study of problems faced by the people living in the Mhadai Sanctury area)**

**एम. ए. पदवे खातीर**

**कोंकणींत सादर केल्लो प्रबंध**

**KON-650**


**सोदवावर करपी: संध्या महादेव गांवकर**

**22P0180007**

**PRN - 201101412**

**मार्गदर्शक: डॉ. प्रकाश पर्येंकार**

**सहयोगी प्राध्यापक**

**कोंकणी अध्ययन शाखा शणै गोंयबाब भाशा आनी साहित्य महाशाळा**

**गोंय विद्यापीठ, ताळगांव गोंय**


**2024**

## DECLARATION BY STUDENT

I hereby declare that the data presented in this Dissertation report entitled, "**A socio-cultural and environmental study of problems faced by the people living in the Mhadai Sanctury area"** is based on the results of investigations carried out by me in the konkani at the Shenoi Goembab School of Languages & Literature (SGSLL) Goa University under the Supervision of Dr Prakash S. Parienkar and the same has not been submitted elsewhere for the award of a degree by me. Further, I understand that Goa University or its authorities will be not be responsible for the correctness of observations or other findings given the dissertation.

I hereby authorize the University authorities to upload this dissertation dissertation repository or anywhere else as the UGC regulations demand and make it available to any one as needed.

Signature and Name of Student

Seat no: 22P0180021

Date: 15 April 2024 Place: Goa University

# COMPLETION CERTIFICATE

This is to certify that the dissertation report "**A socio-cultural and environmental study of problems faced by the people living in the Mhadai Sanctury area**" is a bonafide work Carried out by Ms Poojal Prakash Nagvekar under my supervision in partial Fulfilment of the requirements for the award of the degree of konkani in the Discipline Shenoi Goembab School of Languages & Literature (SGSLL) at the Goa University

Signature and Name of Supervising Teacher

Date:

Signature of Dean of the School

School/ Stamp

Date:

Place: Goa University

# मनोगत

गोयांत स अभ्यारण्यां आसात आनी तातूंतलेंच सत्तरी तालुक्यांत येवपी अभयारण्य म्हळ्यार म्हादय अभयारण्य. “म्हादय अभयारण्य वाठारांत रावपी लोकांमदी उप्रासिल्ल्या समस्यांची सामाजीक, लोकसांस्कृतीक आनी पर्यावरणीय अभ्यास “ हो विशय हांवे प्रबंधिका खातीर घेतिलो आसा.

ह्या विशयाचो अभ्यास तुमच्या मुखार सादर करताना मना काळाजासावन खोस भोगता. ह्या  सोदवावराखातीर म्हाका लाभिल्ले मार्गदर्शक आसा डॉ. प्रकाश पर्येकार, हांचे भोव मोलादीक मार्गदर्शन लाबला. हांव तांकां मनाकाळजाल्यान उपकार मानता.

हो सोदवावर पुराय करपाक वेगवेगळ्या व्यक्तिचो सहभाग मेळ्ळो. निर्मल कुलकर्णी, परेश परब, गोपीनाथ गांवस, अॅड गणपत गांवकार, तशेंच सावड्डे, नगरगांव, म्हावशी, खोतोडा, ठाणे ह्या पंचायतीनी आयिल्ल्या वेगवेगळ्या गांवातल्या जाणकारांनी म्हायती दिल्ल्या बद्दल हांव मनाकाळजासावन उपकारी आसा.

हांव साखळी ग्रंथालयाचें, गोंय विद्यापीठच्या ग्रंथालयाचें, पणजी ग्रंथालयाचें मनांतल्यान उपकार आठयता. तशेंच सत्तरीतल्या पंचायतीचे उपकार आठयता. म्हज्या इश्ट संजय सालेलकार, गोविंद मोपकार, वैभव माजाळीकार, संजय गांवकार, प्राजिता पागी हांकांय हांव म्हायती एकठांय करपाक मदत केल्या बद्दल दिनवासता.

हो सोद वावर करताना म्हजी विचारपूस करपी म्हज्या पुराय शिक्षक वर्गाक आनी कर्मचारी वर्गाक हांव दिनवासतां. शेवटाक, म्हजे कडल्यान हो अभ्यास करून घेतिल्ले खातीर हांव सर्वव्यापी परमेश्वरा मुखार आनी म्हजे अंतस्करणांतले सदसद विवेकबुध्दी मुखार नतमस्तक जाता.

थळः गोंय विद्यापीठ -संध्या महादेव गांवकर

# मांडावळ

**म्हादय अभयारण्य वाठारांत रावपी लोकांमदीं उप्रासिल्ल्या समस्यांचो सामाजीक, लोकसंस्कृतीक आनी पर्यावरणीय अभ्यास.**


**प्रकरण 1**

प्रस्तावना 1

संशोधन पद्दती 1.1

समस्या/ प्रस्न 1.2

1.3संशोधनाची व्याप्ती आनी मर्यादा

संशोधनाचीं उद्दिश्टां 1.4

संशोधनाचें म्हत्व आनी कारणां 1.5

**प्रकरण 2**

अभयारण्यः व्याख्या 2, संकल्पना आनी ताचें म्हत्व .

.अभयारण्यः अभ्यासकांनी दिल्ल्यो व्याख्या 2.1

अभयारण्याची संकल्पना 2.2

अभयारण्याचें म्हत्व 2.3

अभयारण्याचे कायदे 2.4

**प्रकरण 3**

.म्हादय अभयारण्याची निर्मिती आनी खाशेलपण 3

गोंयचीं अभयारण्या 3.1

म्हादय अभयारण्याची निर्मिती 3.2

म्हादय अभयारण्याचो वाठार 3.3

म्हादय अभयारण्याचें खाशेलपण 3.4

**प्रकरण 4**

**4.** म्हादय अभयारण्यांतली लोकवस्ती आनी अभयारण्याक लागून थळाव्या लोकांमुखार उत्पन्न जाल्ल्यो समस्या.

म्हादय अभयारण्यांतली लोकवस्ती 4.1

थळाव्या लोकांमुखार उत्पन्न जाल्ल्यो समस्या 4.2

सामाजीक समस्या 4.2.1

लोकसंस्कृतीक समस्या 4.2.2

आर्थीक समस्या 4.2.3

4.2.4राजकीय समस्या

शेती संदर्भांत समस्या 4.2.5

4.जमनीच्यो समस्या 2.6

4.2.7 घरांच्यो समस्य

4.वाटो आनी रस्त्याच्यो समस्या 2.8

**प्रकरण 5**

म्हादय अभयारण्यांत पर्यावरणीय नदरेन उत्पन्न जाल्ल्यो  समस्या

5.1 झाडांची कापणी

5.2 अभयारण्यांत लोकांची मुक्त भोंवणी

5 .3 खाणीचें उत्खनन

5 .4 रानाक लागपी उजो

5.5 जैवीक संपत्तीची शिकार

5.6 प्रदुशण

प्लास्टीक प्रदुशण 5.6.1

5.उदकाचें प्रदुशण 6.2

5.झिलेटीन 6.3

5.आवाजाचें प्रदुशण 6.4

**प्रकरण 6**

समारोप 6.1

निश्कर्श 6.2

# प्रकरण- पयलें

## 1. प्रस्तावना

अभयारण्य म्हळ्यार जैव संपत्तीची कायद्यान केल्ली राखण. असो एक निसर्ग संपन्न भुगोलीक प्रदेश जातूंत रानवटी जनावरांची राखण जाता. धोक्यांत आशिल्ल्या जनावरांक स्थलांतरीत करून राखण करप कठीण असता, देखून त्या जिवावळीची राखण अभयारण्यांत करतात. रानां ना जायत आसात. जनावरां, हांची राखण करप खूब गरजेचें आसा. दोंगर, दोंगुल्ल्यो, न्हंयों, धबधबे अशी सैमीक खाशेलपणा आशिल्लें रान सांबाळ हें अत्यंत गरजेचे आसून तशें केलें जाल्यार पर्यावरणाचें संवर्धन जावंक पावतलें.

गोयांत वट्ट स अभयारण्यां आसात. भगवान महावीर अभयारण्य हें सांगें तालुक्यांत पडटा ताचो वाठार 240.00 चौरस किमी आसा. दुसरें खोतीगांव अभयारण्य (95.59. चौ. कि.) हें काणकोण तालुक्यांत आस्पावता. तिसरें म्हादय अभ्यारण्य (208.48 चौ. कि) हें अभयारण्य सत्तरी तालुक्यांत आसा. चवथें बोंडला अभयारण्य (8.00 चौ. कि) हें फोंडे तालुक्याचो भाग आसा.. पाचवें सलीम अली पक्षी अभयारण्य (1.78 चौ. कि) हें तिसवाडी तालुक्यांत पडटा. निमणें नेत्रावळी अभयारण्य हें (211.05 चौ. कि) सांगें तालुक्यांत आासा .

म्हादय अभयारण्य हें नांव 18 में 1999 वर्सा घोशीत केलें. त्या अभयारण्याचो वाठार 208.48 चौरस कि. मी आसून तें सत्तरी तालुक्यांत महाराष्ट्र आनी कर्नाटकाच्या शिमें लागशिल्ल्या वाठारांत आसा. जैवीक संपत्तीन भरिल्लें अशें हें

अभयारण्य अनेक वैशिश्ट्यांक लागून म्हत्वाचें आसा. अभयारण्यांतल्या पर्यावरणाक आनी जैवविविधतेक जायते धोके आसात, ते म्हळ्यार खाजगी जमनींतली बेकायदेशीर कामां, बेकायदेशीर खणकाम, वाहन येरादारीचें गैरवेवस्थापन तशेंच प्राण्यांची शिकार, झाडां कापप. ह्याअभयारण्यांत झाडां, वनस्पत, वझरे, उपन्हंयो, न्हंयो, दोंगर, झरी जनावरां ,जीवावळ, पक्षी, नुस्तें , फुलां,फळां , वझरे, झरी, वेली ह्या सगळ्यांनी हें अभयारण्य भरिल्लें आसा. अभयारण्य घोशीत केल्ल्यान मोनजातीची आनी झाडांची पोसवण जाता. कायदे आपल्या हातांत घेतिल्ले आसात. ह्या अभयारण्या खातीर सरकारान कायदे केल्ले आसात. हे कायदे तोडून मनीस अभ्यारण्यांत येवपाक शकना. जितली जैवीक संपत्ती, सौंदर्य ह्या अभ्यारण्या अंतर्गत येता तें थंय रावपी लोकांनी सांबाळप सक्तीचे आसा आसा तशें खंयच ना. ह्या अभयारण्यांत रावपी लोकांच्या जिवनांत कांय समस्या निर्माण जाल्यात.

कायद्याक लागून लोकांक आपल्याक जशें जाय तशें वागपाक मेळना. लोक संस्कृतीक गजाली करताना तांकां आडमेळे येतात. अभयारण्याक लागून थळाव्या लोकांक आर्थीक नुकसान जाल्लें आसा. शेती, जमीन मालकी, घरां, घरांच्यो, आनी रस्त्यांच्या समस्यांक तोंड दिवचें पडटा. तांकां जाय तशी कामां करपाक मेळना.अभयारण्य वाठारांत रावपी लोकांक लागून पर्यावरणाची हानी जायत आसा. वेगवेगळ्यो समस्या पर्यावरणांत निर्माण जाल्यात. झाडांची कांपणी, अभयारण्यांत आपल्या कामाक लागून लोकांची मुक्त भोंवडी, गाडयांची येरादारी जाता. तशेंच

रानांनी उजो लागपाचे प्रकार वाडल्यात. वेगवेगळी प्रदुशणां जावपाक लागल्यात. मनीस पर्यावरणाचो वापर आपल्याक जाय तसो करीत आसा. तांकां कितें हानी जातली हाचो विचार ते करीनात. ह्या प्रबंधिकातल्यान लोकांच्यो आनी पर्यावरणाच्यो वेगवेगळ्यो समस्या मुखार येतात. पर्यावरणाची राखण आनी लोकां मुखार उब्यो आशिल्ल्यो समस्या हांचो समन्वय जावप अत्यंत गरजेचें आसा.

## 1.1 संशोधन पद्दती

1. समाजशास्त्रीय अभ्यास.
2. प्रत्यक्ष मुलाखती घेवप.
3. परिस्थितिकी अभ्यास.

## 1.2 प्रस्न/ समस्या.

सामाजीक आनी लोकसांस्कृतीक समस्या

1. रान वाठारांनी आशिल्ल्या देवथळां कडेन वचपाक पक्के रस्ते/ वाटो नात.
2. रानांत वचून होळी हाडपाक बंदी आसा.
3. अभयारण्यांक लागून वांयगण शेती करपाक बंधनां आयल्यात.
4. थळाव्या लोकांक घर बांदपाक, वंय करपाक तशेंच जळवाक लांकडां हाडपाक कायदयान बंदी आसा.

5. लोकांच्यो पारंपारीक जमनी आसात जांचेर लागवड करपाक मनाय आसून जमीन मालकी पासून लोकांक वंचीत रावचें पडटा.
6. झाड पाल्याचीं वखदां आनी हेर गरजेच्यो वस्तू हाडपाक बंधनां आसात.
7. शेत आनी बागायतींची नाशाडी करपी प्राण्यांचो त्रास जाता .

**पर्यावरणीय समस्या**

1. अभयारण्यांच्या वाठारांत वचून थळावे लोक गैर कारभार करतात.
2. अभयारण्यांच्या कायद्या आड वचून लोक रानात उजो घालतात.
3. सागवानी झाडां मारून थळावे लोक नेगोस करतात.
4. प्राण्यांक मारपा खातीर कास आनी भोंवडी कडटात.
5. अभयारण्याच्या वाठारांत रेंवे खातीर उत्खनन करतात.
6. न्हंयंत झिलेटीन घालून उदकांतल्या जिवांचो नाश करतात.

## c. संशोधनाची व्याप्ती आनी मर्यादा

ह्या संशोधना खातीर अभयारण्यांत आस्पावपी केरी, नगरगांव, म्हावशी, ठाणें, सावड्डें ह्या पंचायत वाणरांत येवपी वेंचीक गांवांचो हांगा विचार जातलो. ह्या पंचायत वावरांतले कांय गांव प्रत्यक्ष अभयारण्यांतले कक्षे भितर येतात, जाल्यार

कांय गांव अभयारण्याचे शिमेर आसात. अभयारण्यातले कक्षे भितर आशिल्ल्या गांवांनी प्रत्यक्ष भेट दिवन तांच्या मतांचो आस्पाव ह्या म्हज्या सोद वावरा खातीर केला. हाचे भायर गोंयांत आशिल्ले पर्यावरण तज्ञ आनी पर्यावरण प्रमींच्या मतांचो हांगा आस्पाव केला. राजकीय व्यक्ती आनी अभयारण्या कडेन थेट संबंद आशिल्ल्या अधिकाऱ्यांचीं मतांय गृहीत धरून निश्कर्श काडल्यात.

## 1.4 संशोधनाचीं उद्‌दिश्टां

1. म्हादय अभयारण्य वाठारांत रावपी लोकांच्यो सामाजीक समस्या समजून घेवप .
2. म्हादय अभयारण्य वाठारांतल्या लोकांच्यो लोकसांस्कृतीक समस्यांचो अभ्यास करप.
3. म्हादय अभयारण्य वाठारांतल्या लोकांच्यो पर्यावरणीय समस्या जाणून घेवन ताच्यो जापो सोदप.
4. अभयारण्य निर्मिती अंतर्गत कायदे समजून घेवन पर्यावरणाच्या जमनीविशीं अभ्यास करप.
5. अभयारण्य वाठारांत निर्माण जाल्ल्या विवीध प्रस्नांचेर तोडगो काडप.

## 1.5 संशोधनाचें म्हत्व आनी कारणां

म्हादय वाठारांत रावपी लोकांचे जमनीचें लोकसंस्कृतायेचें जतन आनी सामाजीक, राजकीय व्यक्तींचो वनखात्याक उक्तो विरोध आसा. अशे साबार प्रस्न आसात. हस्तक्षेप आनी पर्यावरण तज्ञ आनी प्रेमींची भुमिका हांच्या वेचारीक प्रस्नांची हातूंत गुतागुंती आसा. ह्या सगळ्यांचो शास्त्रीय विचार करून हो म्हजो सोदवावर हातांत घेतिल्लो आसा.

ह्या म्हज्या सोदवावरांतल्यान म्हादय वाठारांत हो संघर्श कित्याक उप्रासला हाच्यो जापो मेळपाक मदत जातली. तशेंच ताचेर तोडगो काडपाक आदार जातलो.

## संदर्भ


1. Kerkar, Rajendra. Natural Heritage of Goa, Broadway publishing House,year 2016.
2. पर्येंकार, प्रकाश, म्हादय : काळजांतल्यान कागदार.... कला आनी संस्कृती संचालनालय, वर्स 2011.
3. पर्येंकार, प्रकाश, पुरण , बिम्ब प्रकाशन, मे2022.
4. सावंत (धावस्कर), नमन. सत्तरी रंग आनी अंतरंग ,म्हादय लोक उत्सव, वर्स 2019.
5. https://Mr.m.wikipedia.org.>wiki.

# प्रकरण- दुसरें

## प्रकरण: 2 अभयारण्य : व्याख्या, अर्थ, संकल्पना आनी ताचे ं म्हत्व

## 2.1 अभयारण्य: अभ्यासकांनी दिल्ल्यो व्याख्या आनी ताचो अर्थ

**<u>अर्थ</u>**

अभय + अरण्य मेळून अभयारण्य हो शब्द तयार जाला. अभयारण्य ातली वनस्पत आनी जिवावळीक अभय दिवप हो ताचो मुखेल उद्देश. अभयारण्य म्हळ्यार असो परिसर वा भोंवतण ज्या रानांत सुकणीं, सावजां, किडी, मुयो आनी हेर जिवावळ भंय मुक्तपणान रावपाडची वेवस्था करप.

**<u>व्याख्या</u>**

1) *"अभयारण्य म्हळ्यार कायद्यान राखून दवरिल्लें रान, तळीं वा दर्या. मोठ्या प्रमाणांत कायद्याखाला सैमीक जैव संपत्तीची राखण जाता."*

**-चाल्स वॉटरटन**

2)" *अभयारण्याच्या वेवस्थापनाक जापसालदार आशिल्ल्या खात्यांतल्या सगळ्यांत उंचेल्या प्राधिकरणाच्या वा ताच्या नियंत्रणाखाला सोडल्यार जनावरांक मारप, शिकार करप, गोळीबार करप वा तांकां धरप बंदी आसा. असो रान वाठार म्हळ्यार अभ्यारण्य.*

-**वि. के. अगरवाल (Former Head of the zoology Department)**

3)" *सरकार वा हेर संस्थानी सुरक्षित रानां वाठार पशु पक्षांखातीर केल्ली राखीव सुवात म्हळ्यार अभ्यारण्य."*

**-Oxford Dictionaries.**

5) "*सैमीका रावपाची सुवात सांबाळून खंचच्याय प्रदेशाची जैवविविधताय सांबाळप आनी वनस्पत मोनजात हांचो आस्पाव आशिल्ल्या वेगवेगळ्या जातीक सरंक्षण दिवपाचो हेतू अभयारण्याचो आसा जाका लागून पर्यावरण यंत्रणेक हानी जावंक शकता अशा मनशाच्या वावराचेरूय मर्यादा घालता."*

**-पर्यावरण मोगी**

6*) अभयारण्य म्हळ्यार सुकणी वा जनावरांची राखण करून मुक्तपणान रावपाक मेळटा अशी सुवात.*

**(https:// www.wikipedia.org)**

म्हज्या मता प्रमाण: "*अभयारण्य म्हळ्यार जैव, अजैविक घटकांक, जनावरां वा सुकण्यांच्या जातीक प्रतिकूल परिस्थितीक लागून जिवीत उरप कठीण अशा जिवांक आलाशिरो आनी संरक्षण मेळोवपा खातीर केल्लो राखीव वाठार."*

## 2.2 अभयारण्याची संकल्पना.

अभयारण्य म्हळ्यार जनावरां, सुकणीं, किडो मुयो आनी हेर सैमीक घटकांक आरक्षीत केल्ली सुवात. असो जागो ज्या जाग्यार तांकां कसलेच तरेचो त्रास जावचो न्हय म्हूण राखीव केल्लो जागो. ह्या सुवातींत जनावरां धरप, तांकां मारप, तांकां त्रास दिवप ह्यो गजाली वर्जीत आसता. अभयारण्याचो मुख्य उद्देश ह्या सैमीक घटकांक जगपाक मुक्त सुवात दिवप. ह्या सुवातेची काळजी घेवप. थंय सुविधा उपलब्ध करून दिवप. गोंयच्या नदरेंतल्यान सरकाराचें रानखातें हो पुराय वाठार सांबाळटा आनी तांची काळजी घेता.

जून 1999 ह्या वर्सा म्हादय अभयारण्याची अधिसुचोवणी जाल्ल्यान आतां गोंयांत एक राष्ट्रीय उद्यान आनी 6 वन्यजीव अभयारण्यां आसात. वन्यजीव अभयारण्यां वरवीं रानवटी जनावरांक चडांत चड संरक्षण मेळटा. जनावरांक आनी सुकण्यांक मारपाचेर वा गोळीबार करपाचेर पुरायपणान बंदी आसा. जनावरांक पिवपाचें उदक आनी चरपाची सुविधा सरकारान केल्ली आसा. गिमाच्या वेळार जर उदक कमी आसत जाल्यार दोबरे मारून तातूंत उदक भरतात आनी तें उदक जनावरांक पिवपाक दितात. रानांत भोंवून जनावरांची तपासणी करताना जर खंयच्याय जनावरांक जखम जाल्ली आसा जाल्यार रोकडेच ताचेर उपचार करतात.

अभयारण्यां वरवीं भरपूर प्रमाणांत आशिल्ल्या जनावरांची राखण करपाचे यत्न चालू आसात. अभयारण्यांत जनावरांचीच न्हय तर वनस्पतीची, सवण्यांची फुलपाखरांची, नुस्त्यांची राखण मोठ्या प्रमाणांत जाता. पर्यावरणाचो समतोल बिघडिल्ल्यान कांय जनावरां ना जाल्यांत. जनावरां खातीर आमच्या देशांत पयलीपासून अभय दिवपाची पंरपरा आसा. अर्थशास्त्रांत आमकां हत्ती वनाचो आनी व्याघ्र वनाचो उल्लेख मेळटा. रानटी जनावरां खातीर खास अशी सुवात आसा. ती पयलींसावन राखून दवरिल्ली आसा. मागीर भारतात Wild Life Protection Act-1972 हो कायदो केलो.

ताचे पयलीं ब्रिटिशानी 1827 वर्सा पक्षी सर्वक्षण कायदो केल्लो. ह्या कायद्याच्या अंतर्गत राखीव क्षेत्रां जीं आसात तीं निर्माण करपाची परंपरा सुरु जाली. आमच्या देशाची आदली प्रधानमंत्री इंदिरा गांधी जेन्ना पयल्या पृथ्वी परिशदेत सहभागी जाली तेन्ना जगांतल्या सगळ्या नेत्यांनी एकठांय येवन मनशाक जसो गांव आसता, एकाद्री लोकवस्ती आसता आनी तांकां सरंक्षण मेळटा तशेंच प्राण्यांक सुद्धा तांची स्वताची हक्काची जागा मेळपाक जाय अशें थारायलें. तांकां जागा मेळ्ळी ना जाल्यार जशें ‘दोडो’ ह्या नांवाचे पक्षी ना जाले, चिता ना जाल्या तशेंच हेर जिवावळ एकदीस ना जातली. मनशाचे अस्तित्व खूब दुर्बळ जातलें.

मनीस एकटो ह्या पृथ्वीचेर रावंक शकचोना. मनीस आनी रानजिवावळीचे अस्तित्व एकमेकाखातीर पुरक आसता. अमेरिकेंत भयानक अशे प्राणी दिसता जाका वट

वाघळा म्हणटात. तांकां सरकारान मारून उडयात म्हण सांगलें. मोठ्या प्रमाणांत बंदुका हाडून तांकां मारुन उडयलीं. उपरांत दोन तीन वर्साभितर तांकां तांचे दृश्टपरिणाम जाणवले. कारण वटवाघळां जशीं आसलीं तीं उलटी लटकतालीं. तीं पळोवपाक भयानक दिसतालीं. तीं ना जाल्ल्या करणान अमेरीकेतल्या शेतांची नाशाडी जाली. कित्याक लागून शेतांचो नाश जालो हाचो जेन्ना अभ्यासकांनी अभ्यास केलो तेन्ना तांच्या लक्षांत आयले की ही वटवाघळां शेताचेर जे किटक आसताले तें किटक खावपाचें काम करताली. प्रत्यकाचे अस्तित्व एकमेकाखातीर पुरक आसता.

मनशांक सुरक्षित दवरपाखातीर जशे प्रयत्न जाता तशेंच जनावरांक नैसर्गीक अदिवास मेळचो म्हूण वन्यजीव संरक्षण कायदो 1972 च्या अंतर्गत प्रयत्न सुरू जाले. अभयारण्य जर ना जालें जाल्यार तांका आपल्या हक्काचो जागो आसचो ना. मनीस आनी जनावरां हांच्यातलो संघर्श वाडत वतलो आनी  मागीर मनशाचे अस्तित्व संकटांत येतलें. वानर येता आनी केळीची नाशाडी करता. गवेरेडे भातशेती उध्वस्त करता. शेकरो नांवाचो  प्राणी सत्तरी आनी सांगें तालुक्यांत मोठ्या प्रमाणांत आसा. हो शेकरो किनळ आनी मारड ह्या झाडार रावता. पूण हीं दोनूय प्रकारची झाडां खूब कमी जाल्यांत, ती मारून काजींची लागवड केल्ली दिश्टी पडटा. ताका लागून हें जनावर बागायतींत येवन नाल्ल खाता.

## 2.3 अभयारणाचें म्हत्व.

अभयारण्यां स्थापन करपा फाटलो मुखेल हेतू म्हळ्यार जैवविविधताया सांबाळून दवरप रानवटी जनावरांक व्हड प्रमाणांत लोकांनी मारून उडयली. प्रदुशणाक लागून तांच्या प्रजननाखातीर परिस्थितींत तांकां जगप कठीण जालें. हाका लागून जायतीं रानवटी जनावरांच्यो प्रजाती उण्यो जाल्यो. आनी कांय जाती विलूप्त जांवपाचे वाटेर आसात. हें टाळपा खातीर आनी पर्यावरणांचो समतोल तिगोवन दवरपाखातीर अभयारण्यांत रानवटी जीव सांबाळून दवरपाचेर भर दिलो. ह्या कारणान वाठारांनी जनावरांक धरपाक, मारपाक आनी शिकार करपाक बंदी आसा. जनावरांक सोयीचे जिवीत दिवप हो ताचे फाटलो मुखेल हेतू आसा.

एक काळ आसलो जेन्ना आमकां सगळेकडेन झाडांच पळोवंपाक मेळटालीं. आतांचो काळ आसा जंय रानां कापून मेळनात म्हूण झाडां आडमेळी नासतना वाडटात. आनी दोंगुल्ल्यो, दोंगर, न्हंयो, देगणां, वझरे अशी सैमीक खाशेलपणां सांबाळून उरिल्लीं आसता. ह्या सगळ्यांक राखण आशिल्ल्यान ती उदरगत आनी प्रदुशणापासून सुरक्षीत आसतात.

धोक्यांत नाशिल्ल्या पूण संरक्षण आनी सुरक्षेची गरज आशिल्ल्या जनावरांक आलाशिरो आनी राखण दिवपाचें काम हें अभयारण्य करता. अभयारण्यां

जनावरांच्या जिविता खातीर म्हत्वाचीं आसतात. कारण जनावरांक आनी मनशांक एकमेकापासून राखण दिवपाचें साधन म्हणून अभयारण्यां काम करतात. रानवटी जनावरांक सुरक्षीत वाठारांत दवरूंक ना जाल्यार तांकां धोको निर्माण जावंक शकता. कारण तांकां कोणूच सहजपणान नियंत्रीन करूंक शकना आनी मनशाच्या वावराक लागून रानवटी जनावरांच्या रावपाच्या सुवालेक गंभीर धोको निर्माण जाता. अभयारण्यां रानवटी प्राण्यांची पोसवण आनी मरणामेरेन तांच्या जिविताखातीन राखण करतात. जखमी जाल्ल्या जनावरांचेर पयलीं उपचार करतात आनी उपरांतूच तांकां रानांत सोडटात.

वनस्पत आनी जनावरांच्यो विवीध जाती वाचोवपा खातीर सरकारान 1972 वर्सा वन्यजीव संरक्षण कायदो तयार केलो. ह्या कायद्यान जनावरांक मारपाक बंदी घाली आनी तांची रावपाची सुवात कायदेशीर रितीन निश्चित केली.

संघराज्य आनी राज्य सरकारान जायतीं वन्यजीव अभयारण्यां तयार केल्यात. राष्ट्रीय उद्द्यांना, रानां आनी रानवटी जनांवरांचें संरक्षण करता. संवसारीक पांवड्यार जनावरांचेर कात आनी अवयव हांची बेकायदेशीर जावपी विक्री आडोवपा खातीर भारत सरकारान अभयारण्याची निर्मिती केल्या.

अभयारण्यांत झाडांचेर, जनावरांचेर सहज नदर दवरुं येता आनी ताची अचूक संख्या अभयारणांत दवरूं येता. आधुनीक वन्यजीव अभयारणांत सी.सी.टी.वी लायल्यात. ताका लागून बारीकसाणीन हालचालींची पळोवणी जाता. संशोधक अभयारण्यांत भितर आशिल्ल्या जनावरांचो हिशोब दवरतात. तशेंच अभयारण्यांत तयार जावपी समस्यांचेर उपाय सुचयता.

## 2.4 अभयारण्याचे कायदे

1. जखमी पदार्थाच्या वापराचेर बंदी. खंयच्याय व्यक्तीन अभयारण्यांत रसायना, स्फोटक पदार्थ वा हेर खंयचेय पदार्थ वापरचें न्हय, जाका लागून रानवटी जनावरांक धोको निर्माण जावंक शकता.
2. जमनी नावार ना तांकां त्यो मेळच्यो ना.
3. खंयच्याय रानवटी जनावराची शिकार करची न्हय.
4. खंयच्याय रान अधिकाराऱ्याक वा उपनिरिक्षकाच्या पांवड्या सकयल नाशिल्ल्या खंयच्याय पुलीस अधिकाराऱ्याक कायद्याआड गुन्यांवांत वाटो घेवपी व्यक्तीक प्रवेश, सोद, अटक आनी ताब्यांत घेवपाचो अधिकार दिला.
5. खंयच्याय गुन्यांवांत आरोप आशिल्ल्या मनशा कडल्यान लुकसाण भरपांयेच्या रूपान पयशांची रक्कम घेवपाचो अधिकार रान अधिकाराऱ्याक दिला.
6. पर्यटकांक प्रमाण परवानो घेवच्या पयली अभयारण्यांत प्रवेश ना.
7. खंयच्यायव्यक्तीन रानवटी जनावरांची आनी सुकण्यांची शिकार करची न्हय.

# संदर्भ


1. The Wildlife (protection) Act 1972 as amended up to 2006,(2009), Nataraj Publishers, Dehradun.
2. Rajesh, Gopal, (2012). Fundamentals of wildlife management, Nataraj Publishers, New Delhi, Dehradun
3. https://nbaindia.org/uploaded/Biodeiversity/Legal/15.%20Wildlife %20(Protection)%20Act,%201972.pdf
4. https://en.m.wikipedia.orgwiki/Wildlife Protection Act, 1972
5. https://timesofindia.indiatimes.com/city/goa/tigress-and-cubs-spotted-at-mhadei-wildlife-sanctuary/articleshow/69419360.cms
6. http://goawildwatch.blogspot.com/2010/08/mhadei-herpetology-camp-2010.html
7. Rajendra P Kerkar (12 August 2007), “Maulichi Rai of Vagheri”, The Navhind Times, Panorama, retrieved 16 August 2011
8. https://en.m.wikipedia.org/wiki/Mhadei_Wildlife_Sanctuary#cite_ref-FDGOA_2-1

# प्रकरण- तिसरें

## 3. म्हादय अभयारण्याची निर्मिती आनी खाशेलेंपण.

### 3.1 गोंयची अभयारण्यां.

अभयारण्य स्थापन करपा फाटलो हेतू म्हळ्यार पर्यावरणातली जैवविविधताय तिगोवन दवरप. अभयारण्यांक लागून जनावरां, सुकणीं, मुंयो, झाडां, उपन्हंयो, वझरे, दोंगर हांची राखण जाता. गोंयांत स अभयारण्यां आसात तीं म्हळ्यार भगवान महावीर अभयारण्य, खोतीगांव अभयारण्य, म्हादय अभयारण्य, बोंडला अभयारण्य, सलीम अली पक्षी अभयारण्य आनी नेत्रावळी अभयारण्य.

#### 3.1.1 सलीम अली पक्षी अभयारण्य.

सलीम अली पक्षी अभयारण्य हें तिसवाडी तालुक्यांत पडटा. जें 1.78 चौ. क◌ी. आसा. ह्या अभ्यारण्यांत तरेकवार थळावे तशेंच स्थलांतरीय पक्षी पळोवंक मेळटात. ह्या वाठारांत मँनग्रूव झाडां आसात. ही◌ं झाडां तरेकवार नुस्तीं आनी किड्यां सारकिल्ल्या जिवांक पोशण दिता. अभ्यारण्यां लागसर जायते उदकाचे स्त्रोत आसात. पक्ष्यांक बरे तरेन निरिक्षण मेळचें म्हणून ह्या अभयारण्यांत पळोवणी/ निरिक्षण टॉवर बांदल्यात. जायत्या थळाव्या पक्ष्यां बरोबर हांगा फूट आनी पिनटेल सारकिल्ले शिंयाळी पक्षीय भेट दितात.

#### 3.1.2 बोंडला अभयारण्य.

बोंडला अभयारण्य हें फोंडा तालुक्यांत पडटा. पुराय अभयारण्य 8.चौ. कि आसा. हांगा शाळेंत वचपी विद्यार्थी सैम आनी थंयसरलीं जनावरां पळोवपाक येतात. हांगा अभ्यारण्य जंगल रिसोर्ट तशेंच रान खात्याच्यो ल्हान ल्हान खोपी उपलब्ध आसात. राज्य प्राणी गवो रेडो हांगां खुबदां दिश्टी पडटा. बिबटे, वाग हे मासांहारी प्राण्यांतले सगळ्यांत व्हडले आसात जाल्यार वागाटी, जवादीं अशे हेर मांसाहारी जनावरां हांगा दिसतात. मेरू, चितळ, भेकरें हरणां, रानदुकर, साळ, शेकरो अशीं शाकाहारी जनावरां हांगा पळोवपाक मेळटात. हो गोंयातलो एकमेव प्राणी संग्रहालय आसल्या कारणान जायते पर्यटक हांगां भेट दितात. वेगवेगळे प्राणी, सुकणीं, झाडां अभ्यारण्यांत पळोवंक मेळटात. तरातरांचे सोरोप हांगासर आसात. जनावरांची ह्या अभ्यारण्यांत काळजी घेतात. ज्या जाग्यार तांकां दवरिल्यान थंयच तांकां रावचें पडटा. कितलेशेच पर्यटक लागिंच्यान सगळ्या जनावरांक पळयतात. भुरगीं थंय खेळटात . तशेंच तरातरांचीं झाडांय हांगां पळोवंक मेळटात.

### 3.1.3. भगवान महावीर अभयारण्य.

भगवान महावीर वन्यजीव अभयारण्य, गोंय राज्याच्या उदेंतेक उत्तरेसावन दक्षिणेमेरेन पातळ्ळां आनी ताच्या मानवशास्त्रीय आनी सैमीक गुणधर्मा खातीर आंतरराष्ट्रीय मळार वर्सासावन नामना मेळयल्या. भगवान महावीर वन्यजीव अभयारण्य हें सांगें तालुक्यांत आस्पावता. गोंयांतलें हें सगळ्यांत व्हडलें अभयारण्य. हाचो पुराय वाठार 240.00 चौ. कि. आसा. ह्या अभ्यारण्यांत

वनस्पत आनी मोनजातीची गिरेस्तकाय आसा. वेगवेगळ्या तरांचीं जनावरां, झाडां पेडां पळोवंक मेळटात. हाचे भायर कांय म्हत्वाची भूवैज्ञानीक आनी इतिहासीक थळांय आसात. रस्तो आनी रेल्वे ह्या दोनूय मार्गानी हांगा सोपेपणान वचूंक मेळटा. देखीक: चानी, पायथन, कींग कोबरा, हरण बिबटो, सांबर आदी. हांगा पर्यटन संचालनालयान रावपाखातीर बांदिल्लें वस्ती घर आसा.

### 3.1.4 नेत्रावळी अभयारण्य.

दक्षिण गोंयच्या पाचव्या वाठारांत आशिल्लें हें अभयारण्य आसा. जुवारी न्हंयच्या म्हत्वाच्या उपन्हंयच्या नेत्रावळी ह्या अभयारण्याच्या नांवान हें अभ्यारण्य सुमार 211.05 चौ. कि. मी आसा. गिरेस्त जैवविविधताय अदभूत भूंय प्रदेश आनी पिळग्यांनी सैमाकडेन जुळोवन रावपी थळावो समाज हांचे खातीर हो वाठार फामाद आसा. हांगां काळो पॅन्थर, बारीक लोरीस आनी व्हड खरखरीत अशीं जायतीं जनावरां पळोवंक मेळटात.

### 3.1.5 खोतीगांव अभयारण्य.

ह्या अभयारण्यांत कितलेशेच टप्पे आशिल्लें रान आनी दुर्मीळ अशी वनस्पत पळोवंक मेळटा. कर्नाटक राज्याच्या शिमेक हें अभयारण्य तेंकता. ह्या अभयारण्याची 1969 वर्सा स्थापना जाली. रान खात्या खाला चलपी सैम विश्लेशण केंद्र हें मुखेल भांडार जावन आसा. खोतीगांव अभयारण्य हें काणकोण तालुक्यांत पडटा. ह्या अभयारण्याचो वाठार 95.59 चौरस कि. मी आसा. हांगां पर्यावरण, पर्यटन सकुंल केंद्र, कुटी शौचालय, वाचनालय, स्वागत क्षेत्र, भुरग्यांचें उद्यान, रान राखणदार कार्यालय आसा. उंच झाडांचें दाट रान आशिल्ल्यान ह्या अभयारण्याची नामना आसा. तातूंतलीं कांय झाडां 30 मीटर उंचायेमेरेन पावतात.

### 3.1.6 म्हादय अभयारण्य.

गोंयच्या सत्तरी तालुक्यांत म्हादय अभयारण्य पळोवंक मेळटा. 208.48 चौ. कि हाचो पुराय वाठार आसा. ह्या अभयारण्यांत सोबीत, गिरेस्त जैवविविधताय मेळटा. हो वाठार 1999 ह्या वर्सा म्हादय अभयारण्य म्हूण घोशीत केल्ल्यान लोकांक मुक्त पणान रानांनी भोंवपाक मेळाना. हें अभ्यारण्य जैवीक संपत्तीचो सांबाळ करता. हांगा वेगवेगळ्या प्रकारचीं झाडां, फळां, फुलां, जनावरां, जीव जंतू, न्हंयो, झरे, वझरे, नुस्तें पळोवंक मेळटा. ह्या अभयारण्यांत गैर कारभार करपाक सक्त मनाय आसा.

## 3.2 म्हादय अभयारण्याची निर्मिती.

म्हादय अभयारण्यांचो वाठार पयलीं सावन वागांखातीर प्रसिध्द आसा. जून 1999 ह्या वर्सा अधिसुचना काडली. त्या अधिसुचनेचें नांव आसलें म्हादय अभयारण्य आनी नेत्रावळी अभयारण्य. सत्तरींतल्या पुराय रानांच्या वाठारांतल्यान जी न्हंय व्हांवता तिचें नांव आसा म्हादय. म्हादय न्हंय फक्त सत्तरीतच न्हय तर पुराय गोंयच्या लोकांखातीर ती जिवनदायिनी आसा. ह्या न्हंयत आमकां जितलें उदक मेळटा तितलो उदकाचो साठो आमकां आनीक खंयच मेळना. 43% गोंयच्या लोकांची उदकाची तान भागयता.

ही न्हंय जर आमी वजा केली जाल्यार गोंयचें अस्तित्व दुर्बळ जातलें. ही न्हंय गोंयांतली सगळ्यांत मोठी न्हंय. जुवारी न्हंय रुंदायेन मोठी आसा, जाल्यार म्हादय न्हंय 111 किमी लांब आसा आनी गोंयांतलें 1180 चौरस कि.मी. क्षेत्रफळ आसा तें ह्या एका म्हादयच्या वाठाराचें आसा. गोंयचे 12 तालुके आसात तातुंतल्या 6 तालुक्यांतल्यान म्हादय न्हंय व्हांवता. ताका लागून ह्या न्हंयचें अस्तित्व जर उरपाक जाय जाल्यार ताका जंगल जाय. जंगल ना जाल्यार त्या परिसरांतल्यो न्हंयो ना जातल्यो. राजस्थानांत आमकां न्हंयचें अस्तिव दुर्बळ जाल्लें मेळटा, तशेंच महाराष्ट्रांतूय तें पळोवंक मेळटा. तामिळनाडूत कन्या- कुमारी मेरेन सगळे रस्ते उदका पोंदा गेल्ले आसात. कारण त्या परिसरातलें जंगल नश्ट जाल्लें आसा.

जंगल कितें करता? जेन्ना पावस पडटा तेन्ना आमी भिजपाक पावस पडपाक जायना म्हूण, आमी छत्री घेतात. तशेंच निसर्गाकडे छत्री आसा ती म्हळ्यार जंगल. जंगलांतलीं झाडां सगळो पावस आपल्या माथ्यार घेतात. तांच्यानी तो पावस घेतलो ना जाल्यार तो पावस आसा तो जमनीर पडटलो आनी माती सगळी व्हांवून न्हंयत वतली आनी न्हंय पुरतली. ती न्हंय व्हांवपाक पावची ना. झाडां आपल्या मुळांनी उदक साठोवन दवरतात म्हणून जंगल खूब म्हत्वाचें आसा. जंगल जर ना जाल्यार उदक व्हांवून दर्यांत वतलें. जंगल उदक आंगांत शोसून घेता, आनी गिमाच्या दिसांनी हें उदक हळूहळू सोडटा. मागीर तें झऱ्यातल्यान व्हांवपाक लागता.

सत्तरींत 1960 ते 1980 मेरेन पळयलें जाल्यार प्रचंड प्रमाणांत जंगल तोड जाली. ही जंगल तोड सांगें आनी धारबांदोडा तालुको आनी दुसरो सत्तरी तालुक्यांत जाली. ह्या 20 वर्सांत सांगे तालुक्यातले 1933 हेक्टर जंगल काबार केलें आनी सत्तरीतलें 8814 हेक्टर जंगल लोकांनी कुमेर रोप करपाखातीर काबार केलें. जेन्ना हो प्रस्ताव राज्यपालाकडेन मांडलो तेन्ना राज्यपालान ताका मान्यताय दिली.

### 3.3 म्हादय अभयारण्याची व्याप्ती.

म्हादय वन्यजीव अभयारण्य 164.21 चौ. की. मी आसा. करंझोळ, कोदाळ ब्रह्मकरमळी, कोपाडे, चरावणें, देरोडें दाबें, गवाणें, गोळावली, हिवरें बुद्रक, माळोली, पाली नानोडें, पेंढाळ, साट्रें, शिरसोडें, सुरूगुली, शेळप, बुद्रक, झर्मे, केरी, गुळेली, हिवरें खुर्द, क◌ेळावडें आनी वाळपय क्षेत्रातल्या वनां भितर येवपी हे सगळे वाठार म्हादय अभयारण्य वाठारांत आयिल्ले गांव आसात.

गोंय कर्नाटक शिमेवयल्यान साट्रें आनी देराडें गांवांचे उदेंतेचे श◌ीम, उपरांत वांयगिणीचे उत्तरेचे शिम आनी झरणीच्या पश्चिमेचे शिमेवयल्यान आनी उपरांत क◌ेडवाळचे दक्षीणेचे-पश्चिमेच◌ी श◌ीममेरेन तशेंच गोंय कर्नाटक शिमे मेरेन वता आनी भगवान महावीर वन्यजीव अभयारण्याचे उत्तरेचे शिमेक वचून मेळटा.

गोंय कर्नाटक शिमे वयल्यान साट्रे◌ं गांवचे उत्तरे कडले शिमे उपरांत सुर्लाचे पश्चिमेचे आनी दक्षीणेचे शिमेवयल्यान आनी उपरांत गोळावलीचे उदेंतेचे शिमेवयल्या गोंय- कर्नाटक शिमेक तेंकता वा जोडटा आनी उपरांत गोंय राज्याचे केळावडे मेरेनचे शिमे वयल्यान वता.

गवाणें, शिरसोडें, सुरुगुली, करंझोळ उपरांत म्हादय न्हंयचे देगेर ब्राहकरमळी, शेळप बुद्रुक, शिगणें, कोदाळ हांच्या पश्चिमेचे  शिमे मेरेन आनी उपरांत गोळावली, हिवरें खुर्द, हिवरें बुद्रुक, चरावणें ह्या गांवांचे दक्षिणेच्या शिमे वयल्यान वता. मागीर पाली, कोपर्डेच्या उदेंतेचे शिमे वयल्यान वचून मागीर कोपर्डेच्या पश्चिमेच्या शिमे वयल्यान वचून झर्मेच्या दक्षीणेचे आनी उदेंतेची  शिमेक मेळटा. उपरांत झर्मेच्या पश्चिमेचे शिमे वयल्यान गुळेलीच्या पश्चिमेचे शिमेक मेळटा. उत्तरेचे शिमे वयल्यान  दाबेच्या उदेंतेचे, दक्षीणेचे आनी पश्चिमेचे शिमे वयल्यान वता. उपरांत चरावणेचे पश्चिमेचे शिमेक जोडटा. मागीर केळावडेचे दक्षिणेचे शिमे वयल्यान गोंय राज्याचे शिमे मेरेन वता.

## 3.4. म्हादय अभयारण्याचें खाशेलपण.

म्हादय अभयारण्य हें नांव म्हादय न्हंय वयल्यान दिल्लें आसा. म्हादय अभ्यारण्यांत जैवीक संपत्ती भरिल्ली दिश्टी पडटा. 18 मे 1999 वर्सा म्हादय अभयारण्य म्हण घोशीत केलां. म्हादय वाठारांत कितलीशींच जनावरां, सुकणीं, सवणीं, नुस्तें पळोवंक मेळटा तशेंच न्हंयो, उपन्हंयो, वझरे, दोंगर, तरातरांचीं व्हड बारीक झाडां, झरी, पानशिरे पळोवंक मेळटात. ह्या अभ्यारण्यांत वखदी झाडांय मेळटात. जगांत वटवाघुळां खंयच मेळना फक्त तीं म्हादय अभ्यारण्य वाठारांत आसात हें अभयारण्याचें खाशेलपण.

### 3.4.1 रानटी जनावरां.

म्हादय अभयारण्य वाठारांत वेगवेगळी जैवीक संपत्ती पळोवंक मेळटा. रानवटी जनावरां मेळटात. सोसो, पिसय, गवारेडो, साळ, दुकर, वानर, खेतीं, गार, चानी, मेरु, लांडगो, शेंकरो, मुंगूस, जवादें, शिंगाडी, कटांदर, वाग हीं जनावरां अभ्यारण्यांत मेळटात. सगळ्या जातींची तरातरांचीं सुकणीं अभयारण्यांत मेळटा. देखीक- पाखो, मोर, गरुड, घुबड, कोकीळ, बकें, गिडगें, कावळो आनी हेर.

### 3.4.2 वझरे.

म्हादय अभयारण्यात रानांनी कितलेशेच ल्हान, व्हड वझरे अस्तित्वांत आसात. पळोवंक मेळटा. हे वझरे पळोवपाक पर्यटकांची गर्दी पडटा. पावसाच्या दिसांनी कितलेशेच लोक वझऱ्यांचेर न्हावपाक ते वझरे पळोवपाक येतात. साट्रेचो वझर खूब उंचायेवयल्यान पडटात. ह्या वझऱ्याकडे लोक जानेवारी, फेब्रुवारी म्हयन्यांत वतात. पावसाच्या दिसांनी थंय वचपाक मेळना. वांयगिणी एक वझरो आसा. तशेंच ल्हान ल्हान वझर माळोली बांबर, कोदाळ , सावड्डे, पाली, ब्रम्हकरमळी, झर्मे, गोपावळी हांगां आसात. सुर्लाचो वझर पळोवपाक खूब सुंदर दिसत.

### 3.4.3 उपन्हंयो, पानशिरे आनी नाले.

ह्या अभ्यारण्यांत नानेवाडीची न्हंय, वेळसाची न्हंय, रगाडा न्हंय तशेंच सुको पान शिरो, पेंढाळचो पानशिरो , हरपारो, पाटवळचो नालो, खेतोडेचो नालो आसा.

### 3.4.4 दोंगर.

म्हादय अभ्यारण्यांत कितलेशेच उंच आनी रानसंप्पतीन भरिल्ले दोंगर पळोवंक मेळटात. वेगवेगळ्या दोंगरांक वेगवेगळीं नांवां दिल्लीं आसात. पर्यटक रान भोंवडी करपाक ह्या दोंगरांनी वतात. ह्या म्हादयच्या देगणांत सोसोगड, कांतळाची माळी, वाघेरी, मोलगड, सुर्ला, चोर्ले, हुळण, कुमारी, नामोगुणो आसात.

### 3.4.5 नुस्तें.

म्हादय न्हयेंतल्या माश्यांची कांय खाशेलपणां आसात. हांगा ल्हान, मध्यम आनी व्हड आकाराचे माशे मेळटात. थोड्या माश्यांक खवळां आसात थोड्यांक खवळां ना. न्हंयनी मोळयो, करणकाटको, दाणय, आटू, लेणी, चिंगूळ, बुरांटो, पातकां, काडय, हयर, थिगूर, वाळय, तोळी, बाणकचो, शेंगाळी, मरल, घोळशें, खडस, पोंग, बेल हीं वेगवेगळ्या तरांची नुस्तीं उदकांत मेळटात. उदकांत फातरा पोंदा कितल्योशोच कुल्ल्यो धरपाक मेळटात. हें नुस्तें धरपाक कितलेशेच लोक न्हंयानी भोंवतात. वेगवेगळ्यो पद्दती वापरून नुस्तें मारतात आनी खातात.

### 3.4.6 म्हादय अभ्यारण्यांतलें रान.

हांगां कितल्याशाच प्रकारच्या झाडांनी रान भरिल्लें आसा. शिडम, अनंत, खळट, धकम, रूमड, पोशयो, बिबटो, इन्नो, इरी, पाव ही झाडां म्हादयच्या तडीर पळोवंक मेळटात. तशेंच न्हंयच्या तडीक मेण, कुमयो, खळट, बिंबला, चरतें, मोवळी, तुंबो, तिखी, साळूक, चरम, देव केळंबो, विणी, फुलां, पोटकळणीचीं फुलां हीं झाडां मेळटात. तशेंच म्हादयच्या देगणांत किनळ मारट हेद, शिडम, करवंज, काट्टाळो किंजळ, झांबो, नाणो, घोटींग खळट, करमळ, पळस, सिसो, सातूण, काजरो, सालय, नागणीचें झाड, ओम, शेरण, अशोक, मिरयो, कमळ हीं झाडां मोठ्या प्रमाणांत मेळटात. ह्या झाडां भायर वागाटी, शेमो, बेती, बिवोळणी,

कणेरी,   दांगी, मासोटो,   गेळ, कणक आनी हेर कांट्याळ्या वनस्पतीची दोंगरार अरंगला आनी कश्टवां खूब जातात.

# प्रकरण- चवथें

## 4. म्हादय अभ्यारण्यांतली लोकवस्ती आनी तांच्यो समस्या

### 4.1 म्हादय अभयारण्य वाठारांतली लोकवस्ती

सत्तरी तालुक्यांतले कितलेशेच गांव म्हादय अभयारण्यांत पडटा. खोतोड पंचायतीत सुरूंगुली, शिरसोडे, असोडे, गवाणे, वेळगें, गोमळ हे गांव येतात. ठाणे पंचायतींत चरावणें, हिवरें बुद्रुक, गोळावली, सुर्ला, रिखें, दोंगुली हे गांव पडटात. नगराव पंचायतींत नानोडा, माळोली, वायगिणी, कोदाळ, देरोडे, साट्रे, ब्रम्ह करमळी, शिगणें, उस्तें हें गांव अभयारण्यांत येतात. सावड्डे पंचायतींत करंजोळ, कुमठळे, काजरेघाट, कडवळी, सावडे, शिरीत, करमळी, बंदरवाडो, सोनाळी हे गांव पडटात जाल्यार म्हावशी पंचायतींत झर्मे, रोपाडे, नागवें दाबे हे गांव अभयारण्यांत पडटात. ह्या गावांनी रावपी चडश्या लोकांच्यो काजी आसा त्यो अभयारण्यांत पडटा. हे गांव गांवगिऱ्या वाठारांत आशिल्ल्या कारणान थळाव्या लोकांक चडश्या कामाक लाकडाचो उपेग करचोच पडटा. अभयारण्यांत गांव आशिल्ल्या कारणान तांकां आपल्याक जाय तशें रानांत भोवपाक मेळना. अभयारण्य जाल्या कारणान वेगवेगळ्यो समस्या लोकांमुखार येता. थोड्या लोकांचे जागे नावांर ना. अभयारण्यांक सागून तांची उत्पन्न ना जाल्या. ताकां शेत, पीकावळ करपाक मेळना.

म्हादय अभयारण्यात आशिल्ल्या लोकांचो, घरांची आकडो फुडे परिशिश्टांत जोडिल्लो आसा.

## 4.2 म्हादय अभयारण्य वाठारांतल्या लोकांच्यो समस्या

### 4.2.1. सामाजीक समस्या

म्हादय अभयारण्य वाठारांक व्हड प्रमाणांत सैमाचें वरदान आसा. अभयारण्य म्हण घोशीत जाल्ल्या कारणान थळाव्या लोकांक कांय समस्यांक तोंड दिवचें पडटा. सत्तरी वाठारांत म्हादय अभयारण्यांत कांय गांवांचो आस्पाव जाता ते म्हळ्यार सावर्डे, म्हावशी, ठाणें, नगरगांव आनी खोतोडें पंचायत. ह्या पंचायत शिमे भितरलें आसात. ह्या गांवांनी रावपी लोकांक घोशीत अभयारण्याक लागून कांय वेव्हार आपणाक जाय तशें करपाक मेळनात. राखीव अभयारण्याक आमचो विरोध ना पूण पर्यावरणाचे राखणे अंतर्गत आमचेर अन्याय जाता अशें थळाव्या लोकांचें मत आसा. अभयारण्य वाठारांत आस्पावीत केल्ली लागवडी सकयली जमनी, घरां, देवस्थानां तातूंतल्यान भायर काडपाची मागणी ते करतात. आनी हे मागणेक नेट धरल्यार थळाव्या लोकांच्यो समस्या सुटाव्यो जातल्यो अशें सामाजीक कार्यकर्ते सत्तरी म्हालांतलें अॅड. गणपत गांवकार हांचें मत आसा.

म्हादय अभयारण्यांतल्या लोकांक समस्या आसात, त्यो समस्या अभ्यास भोंवडी करताना कथन केल्ल्यो. हें लोक अभयारण्य नाका अशें म्हणिनात पूण ज्यो गजाली आमी परंपरेन करीत आयल्यात त्यो आमकां करपाक सरकारान आडोवपाक जायना अशें तांचें ठाम मत आसा. ह्या लोकांक झाडांचें म्हत्व खबर आसा. झाडां तिगोवन दवरूंक जाय अशेंच ते म्हणटात. करंजोळ गांवांतल्या गांवकारांनी रानांतलीं झाडां मारचीं न्हय म्हूण देवा कडेन गाराणें घातिल्लें आसा.

पयलींसावन आमच्या जाण्ट्यांनीच हें सैम राखला. दोंगर आनी न्हंयांचें संरक्षण केलां. ह्या अभयारण्याक लागून वांयगण शेती करपाक बंधना येतात. रान वाठारांत लोकांच्यो पारंपारीक जमनी आसात त्यो लागवडीखाला हाडपाक सरकार मनाय करता. थंय वचपाक, त्या शेतांनी काम करपाक तांची हरकत आसा. चडशें गांव खूब अभयारण्याक लागीं तेंकून आसात. लोक पयलीं पासून आपल्याक जें कितें रानांतल्यान जाय तें हाडपाक वतालेच. सरणां दाळपाक लाकडां जाय, रांदपाक, उदक तापोवंक, परसो घालपाक ह्या थळाव्या लोकांक लाकडांचीं गरज आसा.

चुलींतल्या गोबराचो वापर ते खत म्हण करतात. गोबराचो वापर ते किटक नाशक म्हण करतात. गांवांतलें लोक शेत आनी पोरसूं रोयतात. हे पिकावळीक तें वंय करतात. घराभोंवतणचो परिसर सुरक्षीत दवरपाक आडो, वंय करतात. बागायती खातीर वंय करची पडटा. वंयचें सामान हाडपाक थळाव्या लोकांक रानांत प्रवेश

करपाक मेळना. हाचे भायर घरा मुखार माटव घालपाक, घराक मदेर करपाक रानांतले लाकूड, वेली, दोर जाय पडटात. तेंवूय हाडपाक मेळना. गरजेची वखदां पालो हाडपाक बंधना आसात.

अभयारण्यांतलीं रानटी जनावरां गांवांनी येवन भोंवतात. लोकांनी केल्लें उत्पन्न खातात. ताची नाशाडी करतात. खेतीं आनी शेकरें नाल्ल खातात. वानर केळीं खातात, साळी काजी खातात. दुकर आनी गवेरेडे बागायतींत भितर सरून मेळटा तें खाताना दिश्टी पडटा. गवेरेड्यांक लागून रस्त्यार अपघातय जावपाची शक्यता आसा. रानांतल्यान तें गवेरेडे उदक पिवपाक सकयल देवतात. अश्यावेळार मनशांचेर तें हल्लो करतात. कितल्याश्याच लोकांक रातचें घरा येतना वतना गवेरेडे रस्त्याचेर मेळटात. गांवांत रावपी लोक आपल्या घराभोंवतणी तशेंच उदक आसा त्या जाग्यार बागायती करतात. केळी, माड, सुपारी मोठ्या प्रमाणांत लायतात. काजूचें पीक सगळ्यांत चड पळोवंक मेळटा. ही उत्पन्न विकून ह्या वाठारांतलें लोक आपलें पोट भरतात. आपलीं कार्यां, उत्सव, सण साजरे करतात. ह्या सगळ्या उत्पन्नाची नाशाडी जनावरां करतात. तशींच कांय सुकणीं, पाखें, मोर, किडे, शेरकां मोठ्या प्रमाणांत उत्पन्नाची नाशाडी करतात. लोकांच्या इतल्या वर्साची मेहनत एका दिसान हीं जनावरां काबार करतात. ह्यो समस्या मोठ्यो आसात. थळाव्या लोकांनी जगचें कशें हें प्रस्न तांचे मुखार आसात. रानांत बिबटो, वाग आनी असणयो वाग राबितो करून आशिल्ल्यान पाळीव जनावरांचेर ते हल्लो करतात. ते खातीर म्हशींक, पाडकांक, बैलांक, बोकडांक भायर फिरपाक मेळना.

जर चुकून अभयारण्या भितर गोरवां गेलीं जाल्यार रानांतलें जनावर तांचेर घुरी घालता. एकटो मनीस न्हयचेर वचपाक भियेता.

अभयारण्य जाल्ल्या कारणान थंय पक्के रस्ते सरकार करीना. रानांतल्या देवथळांकडेन वचपाक तांकां वाटो नात. रानांनी आशिल्लीं देवथळांकडेन वचपाक आनी थंयचे उत्सव करपाक बंदी आसा. हे सगळे उत्सव तांकां वनखात्याची अधिकृत परवानगी घेवन वा तांकां सांग नासतना करचे पडटात.

पावसांत रानांत रोयणींचेर अळमी येतात तीं अळमी वर्साक एकदांच मेळटात. हीं अळमी काडून खावपाची परंपरा आसा. अळमी काडून लोक विकताले पूण आयज अभयारण्याक लागून अळमी रानांत वचून काडपाक मनाय आसा. लोक पयलीं खंयच्याय वेळार भिये नासतना रानांत भोंवतालेच, पूण आतां तें करपाक मेळना. सगळ्या गजालींक, कायद्यांक तोंड दिवचें पडटा. अभयारण्यांत उज्यापेटी घेवन गेल्यार तो सुद्दां गुन्हो जाता. अभयारण्यांत आशिल्ले हे गांव भायर काडूंक नाजाल्यार लोकांक त्रासाचें जावं येता. त्या वाठारांत ध्वनीक्षेप लावप, जय रस्तो आसा थंय मेरेन गाडी घेवन वचपाक मनाय आसा. ज्यो परंपरा पयलीं सावन पिळग्यान पिळगी चलत आयल्या त्यो तांका करपाक मेळनात. अभयारण्य कितलें गरजेचें आसा ताची तांकां जाणीव आसा, पूण लोकांच्यो समस्या आसात तांचेर पयलीं तोडगो काडपाक जाय अशें थळाव्या लोकांचे मत आसा.

थळावें लोक जाय त्याच कामाक झाडांचो वापर करतात. ओगीच झाडां कापीत रावनात. पयलीं भुरगीं तरेतरेचीं फळां खावपाक रानांनी भोंवतालीं. कणेरां, चुरनां, चारां, जांबळा, बोरां, आसोळीं खावपाक सगळे रान भोंवतालीं आनी उमेदीन हो रानमेवो खातालीं. पूण आतां त्या भुरग्यांक रानात भोंवपाक मेळना. आदल्या काळार झोपाळे झाडांच्या वेलींचे वा बेतांचे करताले. उमेदीन भुरगीं खेळटालीं. भुरगेपण सुद्दां आयज जगपाक मेळना. अभयारण्यांत वचपाक बंदी आसल्या कारणान लोकांच्या मुखार अश्यो खुबश्यो साममाजीक समस्या उब्यो रावल्यात. तांचो तांकां सदच्या जिवनांत त्रास जाता.

### 4.2.2 लोक सांस्कृतीक समस्या

आमच्या पर्यावरणाक आनी मनशाचे भलायके खातीर झाडां अमूल्य आसात. आयज सैम आसा म्हूण मनीसजात आनी मोनजात आसा. हिंदू धर्मात सैमाक पुजतात, सैमाची पुजा करतात. चवथ हो सण लोक व्हड ा उमेदीन मनयतात. गणेश चतुर्थीक सैमांतली तरातरांची फळां हाडून माटोळी बांदतात. माटोळी बांदल्याशिवाय गणपतीक पुजयेक लायनात. तशेंच उदकाची पुजा करतात ताका 'गौरी पुजन' म्हणटात. सरस्वती पुजनाक सुद्दा माटोळी बांदतात आनी तें माटोळीचे सामान हाडपाक थळाव्या लोकांक रानांत वचचेंच पडटा. अभयारण्याक लागून ह्यो समस्या निर्माण जाल्यात.

तशेंच उदकाची पुजा करतात. तशेंच बायलां उदकांतल्या गुण्याची पुजा ऋषी पुजना वेळार करतात. हिंदू संस्कृतेत वेगवेगळे पद्दतीन सैमाक पुजप जाता. सैमा बद्दल तांच्या मनांत श्रध्दा आसा. पत्री पुजन करतात. नागाक लोक देव म्हण पुजतात. वागरूपी देवाक आमी पुजतात. वाघेश्वर नांवांची देवळांय आमकां पळोवपाक मेळटात. म्हादयच्या वाठारांत वाघेरी, वागदरो अशीं वागाच्या नांवांचीं थळां आसात. थोड्या गांवांनी राखणदाराच्या नांवान एक झाड पयलींसावन सांबाळून दवरिल्लें आसा. त्या झाडाक राखणदाराचें झाड अशें लोक मानतात. त्या झाडाक ते पुजतात.

सत्तरींत रांय ही संकल्पना गांवांनी पळोवंपाक मेळटा. हया रांयक लोक पुजतात. देखीक, माळोली हांगां निरंकराची रांय, केरी सत्तरी हांगां आजोबाची रांय, कोपाड्डे हांगां ब्राम्हणी महामायेची रांय, करंजोळ हांगां होळयेची रांय, मोलें सत्तरी हांगां घोडकयाची रांय. सगळ्या गांवांची रांय आसता. थळव्या लोकांनी तांचो सांबाळ केला. त्यो लोकांनी निवळ दवरल्या. शिगम्याक होळी घालता तेन्ना त्या होळयेचें झाड मारच्या पयलीं ताची पुजा करता. रानांतल्यान नाचयत गाजयत तिका उखलून हाडून देवळाकडे तिका पुजतात. शिगम्याक हिंदू धर्मांत ही होळी रानांतल्यान मारून हाडून घालचीच पडटा. पयलींसावन लोकांचो असो समज आसा की ज्या गावांतली होळी सगळ्यांत व्हड उंच आसता त्या गांवचें रान सगळ्यांत जास्त आसता.

कसलेंय शेत करता, कसलीय उत्पन्न करता वा घर बांदता वा अशा कसल्याय कामाची सुरवात करता तेन्ना थळावे लोक भुमी पुजन करतात. पयलो मान तो धर्तरी मातेक दितात. ताकाच लागून सत्तरी तालुक्यांत भुमीका देवीचें देवूळ पर्यें हांगां आसा. लोक सांस्कृतीत लोकांनी पयलींसावन सैमाक देव मानिल्लो आसा. वेगवेगळ्या रिती पुर्वजानी रान राखपा खातीर करून दवरिल्ल्यो आसा आनी त्यो आजून मेरेन त्यो ते पाळटात. सत्तरी वाठारांत देवाचे कळस रानांत व्हरून दवरपाची दिर्घ परंपरा आसा ताचे खातीर तांकां वर्साक दोन फावट रानांत वचून ते

कळस गांवांत हाडटात आनी परत आशिल्ले तशें रानांत व्हरून दवरतात. पूण अभयारण्य जाल्ल्या कारणाक लोकांच्या ह्या उत्सवाक खंड पडिल्लो दिश्टी पडटा. वर्साक एकदां जावपी देवाची भौंवडी कायमची बंद पडिल्ली आसा. देव देवचार संदर्भात थळावे लोक सदांच संवेदनशील आसतात. निसर्गाकडे जोडिल्ले आसतात. गांवांनी सगळ्याक सैम संस्कृती आसा. प्रत्येक सण, परबो वा संस्कृतीक गजाली मांडार जातात. तेन्ना ह्या लोकांची रानांकडे संबंद येता.

शिगमो खेळपा वेळार चोर न्हेसयतात. त्या चोरांक हुस्कीचीं फुलां, आंब्याचे ताळे आनी रानांतली रंगीत फुलां वापरतात. हे खातीर लोकांक रानांत वचचें पडटा. रानांतल्यान तीं हाडचीं पडटात. होळी घातली नाजाल्यार शिगमो उत्सवाक सुरूवात जायना. होळयेचे झाड सामकें नीट आनी उंच आसपाक जाय असो लोक समज आसा. होळी ही उंच आसूंक जाय. लांब होळी आसप हे मानाचें आनी गांवचें व्हडपण.

सत्तरींतल्यान अभयारण्य वाठारांत साबार देवथळां आसात, पूण थंय वचपाक रस्ते ना. गोळावली हो सत्तरीतलो गांव आसा थंय सिध्दाचें थळ रानांत आसा. वर्साक एकदां वचून लोक थंय ‘भगूत’ घालतात. झाडांनी ह्या गांवांत वचपाक रस्ते नात. थंय जावपी शिवरात्रेक वचपाक रान खातें मनाय करता.

साट्रें गांवच्या लोकांक होळी घालपाक वयर गडार वचचें पडटा. रस्ते नासल्या कारणान लोकांक त्रास जाता. करंजाळे गांवचे चोर हे खूब फामाद आसा. कितलीशींच वर्सां रानांतल्यान ते झाडां हाडटात. आनी सुळसळो म्हूण करता. आनी ताचेर चोराक दवरतात. हाचे खातीर लागपी झाडां हाडपाक बंधना येतात. तशेंच शिरगांवचे जात्रेक बेत वापरतात. धोंड हातान बेत घेवन जात्रेक वयतात. तें बेत रानांतल्यान हाडचें पडटा. वयर उल्लेख केला ते प्रमाण थळाव्या लोकांचे लोकसांस्कृतीक जिवन रानाचेर आदारून आशिल्ल्यान अभयारण्याक लागून तांचेर असंख्य बंधना आयिल्लीं आसात.

### 4.2.3 राजकीय समस्या

समाज सैमाचेर आदारून आसता तसोच तो राजकीयांचेर अवलंबून आसता. लोकांक मदत करपाखातीर वेगवेगळ्यो सुविधा दिवपाखातीर राजकारणी वावुरतात. लोकांच्यो अडचणी पयस करपाखातीर लोकांक राजकीय लोकांच्या फाटल्यान रावचें पडटा. अभयारण्याचे आनी राजकीय मनशांचें नातें सरकाराकडेन येता. अभयारण्याक लागून कांय राजकीय लोकांच्या मुखारूय कांय समस्या निर्माण जाल्यात. गांव अभयारण्यांत आसल्या कारणान थंय थळाव्या लोकांक रस्तो लायट आनीक बाकीच्यो सुविधा सगळ्यो जाय पडटात. नागरीक वस्तीनी सुधारणां येवपाक मदत जाता.

राजकीय व्यक्ती काम करता म्हूण लोकांक आशेर दवरता. ताका लागून लोकांभितर आनी सरकारा भितर वायटपण निर्माण जाता. आनी राजकीयाखातीर समस्या निर्माण जाल्ली पळोवंक मेळटा. लोकांक फायदो जावचो म्हण कारखाने, घालपाक आडखळी येतात.

थळावे लोक अशिक्षीत आशिल्या कारणान तांकां जें कितें मेळपाक जाय तें तांकां मेळना. तांकां तांची जाणीव आसना. लोकसंख्या वाडटा तश्यो तांच्यो गरजो

वाडटात. घर बांदता आनी रानखात्यान तें आडयलें जाल्यार तो मनीस राजकीयांकडेन वता, तेन्ना राजकीय दृश्टीन कलह जावंपाक शकता. मनशाक कायद्याच्या तागडेंत घालता. त्या मनशाकडे कोर्ट कंचेरी करपाक जायना. तांच्याकडे कायद्यांची जाण नासता. लोकांची अशे तरेन कायद्याचे नदरेन पिळवणूक जाता. गांव पुराय तरेन अभयारण्यांत आस्पाविल्ल्या कारणान, उदकाची पुरवण करप, रस्ते बांदप, वीज पुरवण करप, बागायती खातीर आशिल्ल्यो येवजण्यो ह्या लोकांमेरेन पावोवपाक राजकीय लोकांक अडचणीचें थारता.

### 4.2.4 आर्थिक समस्या

सत्तरी वाठार रानसंपत्तीन पयलींपासून भरिल्लो आसा, रानांक लागून एक थंडसाय मेळटा, रान आसा म्हूण पिवपाक जितक उदक मेळटा, स्वास घेवपाक हवा मेळटा. मनीस, मोनजात सगळी झाडांचेर अवलंबून आसता. मनशाक ह्या सगळ्या वांगडा जगपाक आर्थीक आदार लेगीन तितलोच गरजेचो आसा. थळावे गांवचे लोक आसात ते वेगवेगळे तरेन पयसो जोडून आपलो संवसार चलयतात आनी आपलीं पोटां भरतात. लोक वेगवेगळे उत्पन्न करताले. केळी, नाल्ल, काजू विकून उदरनिवाही करतात. पूण आतां अभयारण्याक लागून लोकांक आर्थीक नदरेन समस्याक तोंड दिवचें पडटा.

आयज लोकांच्यो जमनी तांच्या नांवार चलतालो पूण आयज काजू अभयारण्य वाठारांत आस्पावतात ताका लागून लोकांक काजू हाडपाक मेळनात. तांच्याच मेहनतींचे फळ तांका खावपाक मेळना. कसलीच पिकावळ ताका करपाक मेळना. पयशे मेळपाचें सादन तांच्या कडल्यान ना जालां. जमनींत कसलोच भाज्यो रोवून विकपाक मेळना, सरकाराकडल्ल्यान कसलीच मदत मेळना ताका लागून शेतां बंद पडलात. पुरण शेती काळांतरान बंद पडल्या. वांयगणां करपाक बंदी आयली. हांतूतल्यान लोकांक आर्थीक मदत जाताली ती आयज जायना. कांय लोक रानांनी मिरयां, आवाळे, तिखी, हड्डे हाडटाले आनी बाजारांत विकताले. पयशे जोडपाची ही साधना आता बंद जाला. वखदां हाडपाक रानांत वचपाक

मेळना. वेगवेगळ्या कायद्यांक तोड दिवचें पडटा, अभयारण्या◌ंत आशिल्ल्या गांवांक शेतांय करपाक मेळना. रानांत मेळपी मिरी, ऑकामो, तोरां, आवाळे, हड्डे बेतां विकून लोक पयशे करताले. थळाव्या लोकांक अभयारण्याक लागून हे◌ं सगळे हाडपाक मेळनाक बंदी आसा. शेत रोयले◌ं जाल्यार राना◌ंतली जनावरा◌ं खावण त्रास करतात, हाचो फाटको शेतकारांक बसता. केल्लेंच उत्पन्न अशे तरेन जनावरी खावन उडयिल्ल◌्यान मोठी आर्थीक लुकसाण जाता.

आयज शेतकारांची वायट परिस्थिती पळोवन ताचेर विचार करून तांकां शाकाय मेळपा सारकें निर्णय सरकारान घेवपाक जाय अशें थळव्या लोकांचे मत आसा. नाजाल्यार शेता◌ं नश्ट जावपाची भिरांत लोक व्यक्त करतात. गोंयचे 60% शेतकार भाव◌ान आयज शेतांतल्यान आपल्या कुटु◌ंबांचे पोट भरला◌ं. पिकावळीतल्यान घर चलयतात. भाजी तशेंच अन्न खावपाक विकते◌ं सुद्दा नासतल◌े◌ं, अशें मत थळावे पत्रकार उदय सांवत हाणेन मांडला. थळावे लोक धंदो करपाक गाय म्हशी जर्सी गाय पोसतात. हांकां चारो हाडून घालपाक मेळना. चारो जाय जाल्यार तांकां रानांत वचचें पड़टा आनी रानांत वचपाक बंदी आसा. हाका लागून गोरवा पोसप खूब कठीण आनी कमी जाला. लोकांचो दूद विकपाचो धंदोय कमी जाला. आदल्या काळार घरा घरान गोरवां पाळटाले. तें आयज दिश्टी पडना. कांय लोक रानांनी वच◌ून बेता, कणकी, झाडा◌ं हाडटात आनी ताच्यापासून वेगवेगळ्यो वस्तू तयार करतात.

## 4.2.5 शेती संदर्भांतल्यो समस्या.

पिकाच्या लागवडीच्या माध्यमांतल्यान मोठे योगदान आसा. शेत ना जाल्यार पीक मेळचें ना. आनी मनशाक अन्न खावपाक मेळचें ना. पयलीं लोक फकत शेताचेर जगताले. जें कितें पीक मेळटा ताचेर तांचें पोट चलतालें. रात दीस मनीस शेतांत रावतालो. आतां जनावरांक लागून तांका वायट परिणामांक तोंड दिवचें पडटा. गवो, रानदुकर, शेकरो, खेतीं, वानर हांच्या पासून शेताक मोटो धोको निर्माण जाला.

कुळागरांनी सुद्दां हीं जनावरां लोकांच्या वर्साच्या उत्पन्नाची नाशाडी करतात. कांय शेतकार कामाक, घरांतल्या कार्याक रीण काडटात आनी अशी नाशाडी जाली की शेतकार रिणांत बुडून वतात. बरें जाल्लें पीक जनावरांचो कळप येवन कांय खिणाभितर सगळें काबार करता. जनावरांक मारपाक बंदी आसल्या कारणान मनीस तांका मारपाक शकनात. मनीस आपल्याक वाचोवपाक आपलें शेत बागायती पिकावळ काबार जाता म्हण जनावरांक मारता. पूण तांका मारल्या उपरांत लोकांकूच ताची शिक्षा भोगची पडटा.

आयज शेतकारांची वायट परिस्थिती पळोवन ताचेर सरकारान विचार करप खूब गरजेचें आसा. शेतकार लोकांक थाकाय मेळपा सारको निर्णय सरकारान घेतलो जाल्यारूच शेतकाऱ्यांचीं शेतां, भाटां, कुळागरां जिवंत उरतलीं. शेतां, भाटां कसपाची बंद जाली जाल्यार जगांत मनीस जगपाक पावचो ना. आतां पुरण शेती, कुमेरी

शेतां बंद जाल्ली आसा. अभयारण्यांत असल्या कारणात लोकांक शेतां भोंवतणी, बागायती भोंवतणी वंय करपाक लाकडां हाडपाक मेळनात. माडांक, केळींक, माडयेक झाडांची ताळो हाडून घालपाक मेळना. सामान्य शेतकारा मुखार अश्यो असंख्य समस्या उब्यो आसात.

### 4.2.6 जमनीच्यो समस्या

सतरी वाठार झाडां पेडांनी भरिल्लो आसा. पयलींसावन म्हादय अभयारण्य वाठारांत ल्हान ल्हान गांव आसात. गांवच्या भोंवतणी सगळे रान पसरिल्लें आसा. ह्या रानांनी थळावे लोक राबितो करून आसात. थंयच्यो सैमीक सुवीधा वापरून हे लोक जगत आयल्यात. सत्तरीतले चडशे गांव अभयारण्या भितर आयिल्ल्यान समस्या तयार जाल्यात. पयलींसावन ज्या जाग्यांचेर घरा आसात, जमीन लागवडी खाला आसात ते सगळे अभयारण्याच्या वाठारांत पडटात. लोकांनी जी उत्पन्न केल्ली ती तांच्या हातांतल्यान गेल्या. तांची मेहनत, तांचे कश्ट सगळें फुकट गेलां. खुबश्या लोकांच्यो जमनी नांवार नाशिल्ल्यान लोकांक झगडपाक सुद्दां आदार ना.

लोकांच्या मुखार सगळ्यांत मोठी समस्या आसा ती जमनीची. फुडली पिळगी कशी जगतली? असो प्रस्न ते करतात. जमनीचे मालकी हक्क सरकारान आमकां दिंवचे अशी अभयारण्यांतल्या लोकांची मागणी आसा. वन्यजीव जतनाय कायदो 1972 च्या कलम 18 आनी उपकलम 1 खाला केंद्र सरकारान म्हादय अभयारण्याची अधिसुचोवणी जारी केल्या. ही अधिसुचोवणी 3 जून 1999 ह्या दिसा प्रसिद्ध जाल्या. ह्या अधिसुचोवणे खाला 19 जानेवारीक उपजिल्हाधिकारी राजेश आजगांवकार हांणी लोकांक जमनीत शेत करपाक मेळचें ना, झाडां मारपाक मेळचीं ना म्हण सांगलां. जो कोणाचो रानांच्या जमनीचेर हक्क आसा तांच्यानी

पुरावे सादर करचें अशें सांगलें. ही बातमी भांगरभूंय ह्या वर्तमान पत्रांत 25 जानेवारी 2021 दिसा आयिल्ली.

पयलीं लोकांक जागे नांवार करून दवरपाक दिना आसाले. जागे घेताले आनी घरां बांदताले. ताका लागून थोड्यांचे जागे नांवांर आशिल्ले मेळना. शेळ मेळावली गांवांत सरकार आय. आय. टी करपाक सोदताले. पूण ह्या आय. आय. टी लागून लोकांच्यो जमनी लोकांची उत्पन वचपाक लागली तेन्ना लोकांनी आवाज केलो. जानेवारी 2021 म्हयन्यांत लोक स्वताखातीर झगडले, मोर्चा काडलो आनी शेवटाक आरोग्य मंत्री विश्वजीत राणे हाणी आय आय टीचो प्रकल्प फाटी घेतलो.

अभयारण्यांत आशिल्ल्या दर एका गांवांत समस्या आसात. सगळ्या लोकांच्यो सरकारा कडेन मागण्यो आसात त्यो म्हळ्यार दरेका गांवांत आशिल्ल्या घरांच्या जमनीची मालकी थळाव्या लोकांक दिवप. फाटलीं कितलीशींच वर्सा जमीन कसयतात, लागवडी खाला जमनी आसा ते जमनीचो मालकी हक्क दिवप, रान खात्याच्या प्रस्तावीत अभयारण्यांत आस्पावीत केल्ल्या लागवडी खाला आशिल्ले जमनीचो पूर्ण मालकी हक्क दिवप. मोकाशे जमीन जातूंत लोक लागवड करतात आनी वसणूक आसा त्या जमनींची पूर्ण मालकी हक्क दिवप अशे साबार प्रस्न लोकांचे आसात. आनी तांकां दिसता सरकारान हाचेर विचार करचो. गांवांतली जमीन ही गांवठण म्हणून आसा आनी त्या गांवठणांत रावपी गांवांतले लोक हे

थंयचे राहीवासी आसात. ह्या लोकांच्या नांवाचेर सरकारान जमनी करूंक ना. शेकड्यांनी वर्सां जालीं हे गांव आसात. जमनी लोक कसयतात. पूण ही कसयली जमीन आसा ती सुद्दां सरकारान आपल्या नांवांर करून घेतल्या. रानखात्यान ह्यो जमनी आपल्यो केल्यात. ताका लागून करंजोळ गांवातले लोक रानखात्याच्या कर्मचाऱ्यांक आपल्या गांवांत प्रवेश दिनात. No Entry for forest Department असो बोर्ड लायला.

सत्तरींत कांय आलवारा जमनी आसा, काय सरकारी जमनी आसा. तश्योच रानखात्यांचोय जमनी आसा. थोड्यांकडेन ¼ चो उतारो आसा जाल्यार थोड्यांकडेन कायच उतारो ना. ताका लागून जमनी खातीर झगडपाक लोक पावनात.

## 4.2.7 घरांच्यो समस्या.

अभयारण्य वाठारांत आस्पावीत केल्लो लागवडी सकयल्यो जमनी, घरां, देवस्थाना तातूंल्यान भायर काडप गरजेचें आसा. जशी पिळगी वाडटा तशी लोकांच्यो समस्या वाडटात. लोकांच्यो जमनी नांवार ना. घर बांदपाक ज्यो ज्यो वस्तू जाय पडटात त्यो त्यो वस्तू लोकांक हाडपाक मेळनात. फाटलीं कितलीशींच वर्सां लोक गांवांत राबितो करून राविल्ले आसात.

अभयारण्याक लागून तांची घरा अभयारण्यां भितर येतात. थोडी घरां आसा जाल्यार तीं दुसरीकडे वचूंक शकता, पूण तेन्ना सुद्दां तांची उत्पन्न केल्ली आसा ती तांच्या हातांतल्यान वता. वांयगणी सारक्या गांवांत तीन घरां आसा तीं घरा काडपाक शक्य आसा पूण बाकीच्या गांवांनी शंबराच्या वायर घरां आसात. तांकां दुसरेकडेन व्हरुन दवरप सामकें कठीण. अभयारण्यात घरां आसल्या कारणान लायट, नळ घेवपाक तांकां त्रास जाता.

पयलींसावन गांवांत रावून लोकांनी घरां बांदल्यात, उत्पन्न केला. तें उत्पन्न करपाक तांकों कितलीशींच वर्सां लागिल्लीं आसात. त्या मातयेंत लोकांनी कश्ट केलां. आपलो घाम गळयला. पण अभयारण्य जाल्या उपरांत सत्तरींतले चडशे गाांव अभ्यारण्यांांत पडटात आनी लोकांची इतल्या वर्साची घरां, लागवड सगळी वता. लोकांच्यो समस्या पळोवन अशें दिसता की रानांत आपल्यावाांगडा लोकांक

घेवन रानाचो साबांळ करपाक जाय. रानांत गांवांनी रावपी मनीस आपल्या घराक जाय तितलेंच मदेर हाडटात. बेश्टींच झाडां मारीत रावनात. देवळां कितलीशींच जुनी आसात ती सुद्दां बांदपाक मेळना. घर बांदपाक, घराच्या भोंवतणीच्या गजालीक झाडाचीं लाकडां जाय पडटात ती तांकां हाडपाक मेळना. घराक लागून तांकां ह्या समस्यांक तोंड दिवचें पडटा.

### 4.2.8 वांटो आनी रस्त्यांची समस्या

म्हादय अभ्यारण्यांत कितल्याशाच तरेची वनस्पत मेळटा. म्हादय जैवीक संपत्तीन भरिल्लें आसा. लोकांक वेगवेगळ्या कारणांक लागून रानांत वचचें पड़टा. देवराय ही परंपरा पयलींसावन आशिल्ली पळोवंक मेळटा. अभ्यारण्यांत जे गांव आसात त्या गांवांनी पक्के रस्ते नात. तांकां रस्ते करपाक मनाय आसा. सत्तरीत सांस्कृतीक गजालींक लागून रानांत वचचें पडटा. देखीक, शिगम्याच्या वेळार होळी हाडपाक लोक वतात, सालेलीचे लोक दोंगरार सिध्दाच्या जाग्यार वचून ताची पुजा करतात, गोळावली रानांत वचून भगूत घालपाची परंपरा आसा. खुबश्या गांवांनी राखणदार जाका आमी 'जाग्याकार' म्हण्टात ते रानांनी, दोंगरानी आशिल्ले मेळटात. झाडांनी हांगा मोठ्या उमेदीन दोन दीस शिवरात्र मनयता. साट्रे लोक होळी घालपाक साट्रे गडार वतात. अश्या गजाली वेळार रानांनी वाटो सारको ना. सावद मारूंक वता जावं फुला, फळां हाडपाक वता तेन्ना रानांनी तांकां वाटो मेळना. लोक रानांनी वाटो काडून काडून वता. अभ्यारण्याक लागून वाटो वा रस्ते करपाक ह्या लोकांक बंदी आसा. लोकांक जाय तशें बिनधास्त भोंवपाक मेळना. गोरवां चुकून रांनांत गेलीं जाल्यार तांकां गांवांत परतून येवपाक त्रास जाता. सगळ्याक दाट रानूच दिसता वाटो खंयच दिश्टी पडनात.

# संदर्भ

# प्रकरण- पांचवें

## 5. म्हादय अभयारण्यांत पर्यावरणाचे नदरेन उत्पन्न जाल्ल्यो समस्या.

### 5.1 झाडांची कापणी.

म्हादय अभयारण्याच्या वाठारांत शेंकड्यानी वर्सां पिराय आशिल्लीं झाडां पेडां आसात. ह्या वाठारांत सैमाचें वरदान हांगासरल्या लोक जिणेक व्हड प्रमाणांत आदार दिता. हांगा वेगवेगळ्या प्रकाराचीं, वेगवेगळ्या नांवाचीं झाडां आसात. ह्या झाडांच्या लाकडांचो उपेग विंगड विंगड कारणांक लागून जाता. देखीकः घरांत वापरतात त्यो वस्तू मुसळ, वाळण, आरो, खुंठी, वलतेर, कुराड, निसण, नांगर, माप, मेज, अश्यो कितल्योशोच घरांत वापरतात त्यो वस्तु झाडापासून थळावे लोक तयार करतात.

पयलीं लोक कुमेरी शेत म्हण करताले. कुमेरी शेत हें दोंगरार जातालें. कुमेरी शेत करताले तेन्ना झाडां लोक कापताले. थंय निवळ करताले आनी नाचण्याची पिकावळ काडटाले. ते कुमेरी शेताचेरूच गांवांतले थळावे लोक आपलें पोट भरताले. दर वर्सा दुसरे दुसरे कडेन दोंगर कापून शेत करचें पडटालें आनी ह्या कारणाक लागून झाडां कमी जायत गेलीं. आदीं लोक जाय तेन्ना रानांत वताले आनी झाडां मारून हाडटाले. तेन्ना तांकां कोण कितलींय झाडां मारली जाल्यार विचारी नासलो. गांवांनी घरां आशिल्ल्या कारणान झाडांचो उपेग लोक खुबशा वापरा खातीर वापरताले. झाडां कमी जालीं जाल्यार ताचो परिणाम कितलो वायट जातलो हें मनशाक

कळूंकच ना. गांवात लोक झाडांचो गैरकारभार करपाक लागले म्हूण ती कमी जायत आसात आनी एक झाड व्हड जावपाक कितलीशींच वर्सां वतात.

अभ्यारण्य जावपा फाटलें कारण थळावे लोकूच आसात. कारण मनीस झाडां नश्ट करून आपल्याक रावपाची सुवात तयार करपाक लागलो. मागीर गांव जाले. गांवांची शारां जालीं. दोंगर वाठारांतलीं झाडापेडां, मोनजात वाचोवपाखातीर अभयारण्य तयार केलें. पुराय संवसारांत तशेंच हेर राज्यांनीय पर्यावरणाच्यो समस्या निर्माण जाल्यात. पावस सारको पडना. तापमान वाडपाक लागला. वागांचो आंकडो उणो जाला, रानां काबार जाल्यात. उश्णता वाडपाक लागल्या. उदकाचीं थळां सुकपाक लागल्यांत.

रानांची कत्तल चालू आसल्या कारणान दोंगर बोडके जायत आसात. राना ं काबार जाल्ल्या कारणान बिबटे तशेंच हेर रानवटी जनावरां लोकवस्तींत घुसपाक लागल्यांत. गांवांतले लोक वंय करपाक, जळोवपाक, लाकडाचीं अवजारां तयार करपाक, घराक मदेर करपाक अशा खुपश्यो घरांतल्यो गरज्यो पुराय करपाक झाडां मारून हाडटात. कायद्याआड वचून थळावे लोक नेगोस करतात. रानांनी कितलीशींच झाडां काबार जाल्लीं दिश्टी पडटात. अभयारण्य जालें जाल्यारूच झाडां वाचतलीं, पर्यावरणाची राखण केली ना जाल्यार गांवाचें शार जावपाक वेळ लागचो ना.

### 5.2 अभयारण्यांत लोकांची मुक्त भोंवडी.

अभयारण्य हें झाडांचें, उदकाचें, जनावरांचें रक्षण करपाखातीर जाल्लें आसा. मनीसजात वचून खंय ना खंयतरी निसर्गाक हानी करतना दिश्टी पडटा. आपल्या स्वार्थाखातीर झाडाची कापणी करतात. रानांनी वचून झाडां कापतात. कांय लोक झाडां कापून त्या लांकडाचो धंदो करतात. आपल्या घरांतल्यो तरेतरेच्यो वस्तू करपाक झाडांचो उपेग करून घेता. एका झाडाक वाडपाक खूब वर्सां लागिल्लीं आसता पूण मनीस एका धपक्यान तें झाड मारून उडयता. निसर्ग ना जालो जाल्यार मनीस जात, मोनजात कशी जगतली हाचो ते विचारूच करिनात. रानांनी जीं जनावरां आसा तांची शिकार जाल्ली मेळटा. मनीस रानांत वचून तांची शिकार करता आनी तें मास हाडून खातात. ताका लागून कितलीशींच जनावरां कमी जायत आयल्यात.

गोंयकारांचें नुस्तें हें जेवणातलो म्हत्वाचो घटक आनी तातूंत गांवठी नुस्त्याक लोक पयलें प्राधान्य दितात. पावसाच्या दिसांनी लोक चड प्रमाणांत नुस्तेंमारी करतात. नुस्तेंमारी करपा खातीर अभयारण्यांत लोक छंद म्हणून येतात आनी हाका लागून थळाव्या लोकां बरोबर भायल्या लोकांचो आस्पाव अभ्यारण्यांत वाडटा आनी चड प्रमाणांत नुस्तेंमारी जाता. पावसाच्या दिसांनी खास करून लोक अळमी सोदपा खातीर खूब प्रमाणांत अभयारण्यांच्या रानांनी भोंवतात आनी अळमी काडटात.

झाडां पाल्याच्या वखदांची आमचेकडेन खूब व्हडली परंपरा आसा. पाळामुळां, वेली, पानां, साली हांचो वापर वखदां खातीर जाता. हाका लागून लोक रानांनी भितर भोंवपाक वतात. घरगुती वापरा खातीर लाकडां वापरप जाता. हाका लागून बायलां अभयारण्यांत वतात. खास करून पावसा पयलीं. सैम पळोवंक, वझऱ्यानी तशेंच न्हंयानी न्हावपाक लोक अभयारण्य वाठारांत येतात.

## 5.3 खाणीचें उत्खन्न.

म्हादय अभयारण्यांत न्हंयाच्या पागांत कितलेशेच कडेन रेंव काडटाना दिश्टी पडटात. लोक ट्रक भरून भरून रेंव व्हरतात, कोण घराक लागून व्हरता ना जाल्या कांय लोक रेंवेचो धंदो करतात. उस्तें गांवांत बोंडकीचे कोंडीकडेन दुस्कीर, म्होंवाच्या गुंड्यार, मुसीर सोनाळी, धवळांतले कोंडीकडले पुरणींत, तार सावड्डें, घोटकय, कुडशें, शिरीतले गोठणीर, व्हाळाची मूस, पणसमळार, वेळगें, खोतोडें हांगा रेंव काडून रेंवेचो धंदो करतात. आयज सिमेंट, कॉंक्रिटाचें बांदकाम मोठ्या प्रमाणांत चालिल्ल्यान रेंवेक तेजी चड आयल्या. चिरे काडल्या कारणान खंय ना खंय जमिनीक हानी जायत आसा. क्रशराच्या आवाजान आवाजाचें प्रदुशण जाल्लें पळोवंक मेळटा. खडकी हांगा क्रशरान खडी काडिल्ली मेळटा. झरमें ह्या गावांत हो धंदो बंद जाल्लो मेळटा. खणीच्या उत्खन्नाक लागून पर्यावरणाक हानी जाल्या. दोंगर कातरून ह्या खडयेचे वेव्हार करपाक लागल्यात.

## 5.4 रानांक लागपी उजो.

रानांनी तरातरांचीं दाट, गच्च भरिल्लीं झाडां, वेली पळोवंक मेळटात. सुकीं लाकडां, सुकीं पानां, तण रानांनी आसता. पयलींसावन रानांक उजो लागता. रानवटी उज्याचो जैवविविधतेचेर टिकपी वायट परिणाम जावंक शकता आनी सदां पाचव्या रानां खातीर तो धोक्याचो आसता. सगळ्याक वेगवेगळे तरेचीं रानां सगळ्याक सांपडटात. रानांत पडपी उज्याक लागून वायट परिणाम जाता हें निश्चीत आसा, पूण सगळ्या प्रकाराचो रानांतलो उजो सदांच हानीकारकच आसता.

रानांतल्या उज्याचे तीन प्रकार आसात. पृश्टभागाचेर पडपी उजो, जमनीवयलो उजो आनी दोंगर माथ्यावयलो उजो. पृश्ठभागाचेर जावपी उजो नियंत्रीत करप सगळ्यांत सोपें आसता. आनी तातूंल्यान उण्यांत उणें लुकसाण जाता. कारण हो उजो फक्त पृश्ठभागाचेर आशिल्लें तण जाळटा. जमनी वयर आशिल्लो उजो एक प्रकारचो उजो आसा जो सुक्या तणाच्या आनी हेर वनस्पतीच्या राशींत जळटा. असो उजो जरी खूब सवकास पातळटा तरी ताचेर नियंत्रण दवरप कठीण आसता. दोंगर माथ्यावयलो उजो सगळ्यांत वेगान सगळें जाळून उडयता, कारण तातूंतल्यान पुराय झाडां आनी जिवावळ जळटात. हो उजो वाऱ्याक लागून झाडाच्या वयल्या भागांत नेटान पातळूंक शकता.

मनशान केल्ले आडनदरेक लागून आनी वीज पडून लागपी उज्याक लागून जरी रानांत उजो पेटपाक शकता तरी हवामानांत बदल, भूंय वापरांत बदल आनी रानांचे वेवस्थापन वायट आशिल्ल्यान  उजो लागपाची शक्यताय चड आसा. जायतीं कुटुंबां आनी समाज अन्न आनी इंधन हांचे खातीर रानाचेर आदारून आशिल्ल्यान रानांतल्या उज्याचो अर्थवेवस्तेचेर परिणाम जावंक शकता. रानां जळ्ळ्यार धुंवर आनी विशारी वायूचें उत्सर्जन जाता आनी ताका लागून मनशाचे भलायकेचे प्रस्न उप्रासतात. झाडां ना जाल्यार हवामानाची परिस्थितीत बादा येवंक शकता आनी कार्बन साखळी मोडूंक शकता.

रानवटी उज्याक लागून जनावरांच्या रावपाच्या सुवातेक लुकसाण जाता, जाका लागून ती शारांनी वा गांवांनी भौंवतात. जायतीं जाणा उज्यांत मरतात. जमनीचेर तरांतरांच्यो ल्हान ल्हान  मुंयो, जीव जंतू आसतात ते एका धपक्यान मरून वतात. जशें व्हडलें वादळ आयलें की सगळें घेवन वता, तशेंच उजो त्या जीव जंतूक जाळोवन उडयता. उज्याक लागून वनस्पत आनी मोनजात नश्ट जाता.

रानांक उजो हो शेंकड्यांनी वर्सापासून केन्ना ना केन्ना तरी लागता. ज्या वेळार दाट रानां आसता आनी झाडां वाऱ्यान झरतात. तीं इतलीं झरतात की ती गरम जावन जावन तांका उजो पेट्टा. वेगवेगळ्या कारणांक लागून लोक रानांनी उजो लायता.  गारांचे भोंवडेक वता तेन्ना गारांच्या बिळांनी लोक धुकटो घालतात आनी

गारा ं धरतात. कांय लोक कासाक वतना थंडी पडटा म्हणून रानांत लाकडां एकठांय करून उजो घालतात तो तसोच दवरून घरा वतात. वीज सुक्या लांकडार पडली जाल्यारूय रानांत उजो लागपाक शकता. लोक आपल्यो काजी निवळ करतात आनी उजो घालतात आनी तो उजो वाऱ्यान सगळ्याक पसरता. लोक सैम पळोवंक येतात तेन्ना सिगरेट वोडटात आनी ती जमनीर उडयतात. जमीन तापिल्ली आसता. झाडांचीं पडिल्लीं पानांय बरी कुरकुरीत असतात. हें सगळें उजो रोकडोच ओडून घेता आनी रान पेट्टा.

जानेवारी 2020 ह्या वर्सा सत्तरीतल्या कांय दोंगरांक गिमाळ्यांत उजो लागलो उजो पालोवपी दळान वेळार सादूरताय दाखोवन 96 लोकांचो जीव वाटायलो. तशेंच 585 जनावरांचो जीव वाटावपाक येस मेळयलें. 2023 वर्सा मार्च, एप्रिल, मे म्हयन्यांत सत्तरीत रानांनी सगळे कडेन मोठ्या प्रमाणांत उजो लागलो. सगळे गांवांतले आनी पर्यावरण मोगी लोक आपलो काम धंदो सोडून तो उजो पालोवपाक धडपडटाले. थोडे जाणांचें अशे मत आसा की आपल्या स्वतःच्या काजीनी काजी भाजता आसतना उजो चुकून गेलो. अशीं कारणां मुखार आयलीं पूण कसो उजो लागलो हें कोणाकूच कळूंक ना.

उज्याच्यो ज्यो फाटल्यो घटणा घडल्यात तांचे विशीं आमी पळयलें जाल्यार एक गजाल म्हज्या मता प्रमाण स्पश्ट दिसता की मानवी चुको करून मनशान मुद्दाम

लायिल्या उजाची प्रकरणां चड आसतलीं. हाचीं कारणां वेगवेगळीं आसत. एकामेकां मदल्या दुस्मानपणाक लागून आसूं वा हेर कसलेय तरेच्या फायद्या खातीर लायिल्लो उजो रानांनी पातळटा. सुरवेक ल्हान आशिल्लें उज्याचें स्वरूप उपरांत वारो, वत, सुकें तण ह्या सगळ्या पोशक गजालींक लागून उग्र रूप धारण करता. आनी मागीर ताका नियंत्रीत करप कठीण जाता. हाका लागून खूब सैमीक हानी जाल्ली दिसता.

## 5.5 जैवीक संपत्तीची शिकार.

रानांत आनी म्हादय अभयारण्यांत रानवटी जनावरांची कास करप गैर आसा. रानजीव संरक्षण कायद्याखाला रानवटी जनावरांची कास कारप हाचेर कारवाय करपाखातीर कायदो अमलात आयला. सरकारान रानांनी कॅमेरा लायिल्ले आसात. कॅमेरांत ट्रेप जाल्या उपरांत कोण कास करता तो कळटा. 2021 वर्सा नगरगांव पंचायत वाठारांत धांवे गांवचे गोकुळदास गांवकार आनी विश्वास आयकर हे बंदुका आनी काडतुशी घेवन सांपडिल्ल्याची नोंद मेळटा. तशेंच गोळावली गांवांत वागाक मारून ताचीं नाकटां काडिल्ल्याची एक केस मेळटा. जें काम करपाक परवानगी ना हें खबर आसून लेगीत कांय लोक गैरकारभार करतात. अशे कितलेशेच लोक रातचे कासाक वचून जनावरां मारतात. कांय लोक शिकार करताना जनावरांक आकर्शीत करपाखातीर वा व्हरपाखातीर जनावरांच्या आवाजांचो उपेग करून तांकां आपयतात. जनावरां धरपाक सुण्याचो उपेग करतात. तशेंच जाळी, तुबकां आनी कॅबलाचो वापर

करतात. सोंशाची शिकार करपाक फास्के लायतात. पांयांचो आवाज सुध्दां कोणाक आयकुपाक येवपाक जायना म्हण शिकार करतना मनीस रानांत शांतपणान चलता. जनावरांक धरपा खातीर वा मारपा खातीर सांपळे लायतात, खड्डे मारतात.

म्हादय वाठारांत रान जनावरांची शिकार चड प्रमाणांत जाता ती म्हणल्यार पिसय, शेकरो, मेरूं, दुकर, साळ, सोसो, कांसव, भेकरें, कटांदर, शिंगाडी, गार आनी हेर. तशेंच नुस्त्याची शिकार मोठ्या प्रमाणांत जाल्ली मेळटा. न्हंयतलें नुस्तें जशें काडय, हयर, वाळय, तोळी, मरल, शेंगाळी, घोळशीं, बेल, मोळयो, थिगूर हांकां लोक झिलेटीनाचो स्फोट करून मारतात.

शिकार ही वेगवेगळ्या प्रकाराची आसता. गांवांतल्या वाठारांनी वेगवेगळ्या पद्दतींनी शिकार जाल्ली पळोवंक मेळटा. कासाक वचपी शिकार, भोंवडीक वचपी शिकार, देवाच्या भोंवडेची शिकार, गारांची शिकार, फांस घालून प्राण्यांक मारपाची शिकार, बोम्ब घालून मारपाची शिकार, विशारी फळां धडोवन मारपाची शिकार तशेंच नुस्तें, पक्षी, कांसव मारपाची सुध्दां आमच्या जैवीक संपत्तीतली एक प्रकारची शिकारच आसा. कासाक वता ते लोक रातचे वतात. ते बंदुका घेवन वतात आनी जनावरांक मारतात. मारिल्लें जनावर हाडून घरा खातात आनी कांय मास विकून पयशे जोडटात. गाराच्या शिकारेची भोंवणी दिसाचीच जाता. गाराक धरपाक कुत्र्यांचो वापर करतात. गार आसा थंय उजो घालून धुकटो करता आनी ताका धरतात.

देवाची भोंवणी ही थळाव्या गांवांत जाता. रानांनी वचून सावज मारून हाडटात आनी देवाक बळी दितात. सावाज शिजोवन सगळे गांवचे लोक खातात. पयलीं जेन्ना व्हाळाचेर, तळ्याचेर जनावरां बसतालीं, उदक पिवपाक येतालीं तेन्ना थंय कांय लोक विशारी फळां धडोवन उदकांत घालताले आनी तें उदक पिल्या उपरांत तीं जनावरां मरतालीं. फांस लायतात आनी जनावरांक मारतात. रानकोंब्यांची, कोंबडेची शिकार लोक करतात. जे लोक जनावरां खायनात ते त्या जनावरांचो वापर करून पयशे जोडटात. अशाय जनावरांची शिकार जाता.

वाग ह्या जनावराची शिकार करून ताचें चामडें, नाकटां, दांत विकून लोक धंदो करतात. गाराचें चामडें घुमटाक वापरतात. ही सुध्दां एक प्रकारची शिकार जाता. कांय लोक सुकणीं मारतात. म्हादय वाठारांत नुस्तें मारपाची शिकार सगळ्याक पळोवंक मेळटा. नुस्तें आडोवपाक तशेंच कुल्ल्यो धरपाक दबकें, खूण, खुणकूट हांचो वापर करतात.

नुस्तें धरपाक बालें न्हंयत घालतात. दिपकावणेच्या वेळार शेणलाचो वापर करतात. लोक झिलेटीन न्हंयत घालून नुस्तें मारतात. झिलेटिनाच्या स्फोटान कोंडीत आशिल्ले ल्हान व्हड माशे मरून पडटात. भितर आशिल्लीं मानगीं सुध्दां मरून वतात. कांय लोक राम्याच्या झाडाची साल काडटात आनी धडोवन उदकांत सोडटात.

माशे पळून वचचें न्हय म्हण ही तड ते ती तड मेरेन आडवीं बालीं सोडटात. राम्याच्या सालीन नुस्तें मरता.

कोंडकांनी माशे आडावन त्या माश्यांक मेण घालून मारतात. ब्लिचींग पावडर घालतात आनी ह्या पावडराच्या वासान थंयसल्लें नुस्तें मरता. तशेंच उदक सगळें दुशीत जाता आनी उदकाक वास मारता. उदकाचो वापर केलो जाल्यार ताच्या जिवाक धोको निर्माण जावंक शकता. कांय लोक गरोवणी करपाक वता. गुंडो, खोडां, साली खोलप्या पोंदा गांयडोळ सोदतात आनी तो गायडोळ गरयेक लावन गरयतात. अशा वेगवेगळ्या तरेन रानवाठारांत शिकार जाल्ली पळोवंक मेळटा. स्वतःच्या फायदयाखातीर मनीस खंय ना खंय पर्यावरणाक हानी करताना दिसता. अभ्यारण्य जावंक ना जाल्यार ह्यो शिकारी केन्नाच थांबपाच्यो ना आनी जैवीक संपत्ती कमी जावपाक वेळ लागचो ना.

## 5.6 प्रदुशण.

पर्यावरणशास्त्र हो जीवनशास्त्राचो एक फोटो. हो फोटो जिवांच्या एकामेकांकडेन आनी जिवांच्या पर्यावरणाकडेन आशिल्लो परस्पर संबंदाचो अभ्यास आनी विश्लेशण करता. जिवांचो एकामेकाडून कसो संबंद आसा, ताचो एकामेकांचेर कसो परिणाम जाता, अजैवीक घटकांचेर कसो परिणाम जाता हाचो अभ्यास म्हळ्यार

पर्यावरणशास्त्र. जीवशास्त्र, भूगोल, आनी भूंयशास्त्र हांचो मेळ घालून रसायनशास्त्र, भौतिकी आनी संगणक शास्त्राचो उपेग केल्ल्यान पर्यावरणशास्त्र हो अंतिरविधा विशय आसा.

सैमांत जिवांचे वेगवेगळे प्रकार आसात. तातूंत वनस्पत आनी जनावरां सारकिल्ले जैवीक नदरेन प्रगत आनी जटील जीव जाल्यार बुरशी, आमीबा, बॅक्टेरीया आदी जीव हांचो आस्पाव जाता. सादे आनी सादे जीव आसात. ल्हान वा व्हड, सादे वा गुतागुंतीचे अशे खंयचेच जीव एकलेच जियेवंक शकनात. दर एक जीव कांय तरेन हेर जिवांचेर वा पर्यावरणांतल्या अजैवीक (अजीव घटकांचेर) आदारून आसता. देखीकः जर एका वाठारांतलें तण नश्ट जाल्यार त्या वाठारांतलें हरण सारकिल्लीं जानवरां चरपा खातीर हेर कडेन वतात वा उपाशी पडटात. तेच प्रमाण वनस्पत पोशक तत्वां खातीर आपल्या वातावरणचेर आदारून आसता कारण जनावरांचे विशारी तशेंच मेल्ल्या जनावरांच्या आनी वनस्पतीच्या विखापसून तयार घटक थंयच्या वनस्पती खातीर गरजेचें आसतात.

गोंय राज्य आयज संवसारभर हांगाच्या सैमाकय लागून फामाद आसा. हांगाचो सैम खूप आदीं सावन भायल्या लोकां वांगडाच थळाव्या गोंयकारांकूय भुलयत आयला. हें सैमचित्रण कवी आपल्या कवितांनी 'सैम-तूस्त' म्हण करतनाच प्रतिकात्मक नदरेनूय वापरतात. आपल्यो साबार तरांच्यो भावना स्पश्ट करतना

कवी खाशेल्या सैमाकूच प्रतिकात्मक रूप दिवपाचो यत्न करतात. हांगची दर्यावेळ, न्हंयो, वझरे, तळीं हांगाचे शितळकायेंत भर घालतनाच कवीमनाकूय प्रभावीत करतात. हांगाची रानसंपदा, जिवावळ लेगीत दरेकल्याचें लक्ष आपले वटेन ओढून घेतात. खंयचोय कवी गांवाचें वर्णन करतना ह्या सैमाचें प्रतीबिंबूच शब्दबद्ध करता. हांगाची उदैत, फांतोड, सांज, रात जशी मनाक भूल घालता तसोच हांगाचो पावस, श्रावण, मीर्ग, दडक, आसोर, ओथांबे लेगीत मनभुलवणे थरतात. हांगचो आंबो, पणस, माड, माडयो, कुळागर, भिंडीण, केळ, चिचेरूख, मोगरीं, जाय, जूय, शब्दुली, शेंवतीं, आबोलीं, वोंवळां सगळेंच मनभुलोवणें, सगळेंच सुखदिणें. अशा ह्या सैमीक आंगान समृद्ध आशिल्ल्या भुंयेचें वर्णन साहित्यांत पडबिंबीत जावप सभावीक आसा.

समाजांत आशिल्लो हो 'सैम मोग' आमकां आमच्या लोकगितांतल्यान जाणवता. सैम आमकां केळयता देखून आमीय सैमाक साहित्यांत केळोवंक शकतात. सैम-कवितेंत चड प्रमाणांत गांवगिऱ्या सैमाक मुखेल सुवात फावो जाता. जो कवी गांवगिऱ्या वाठारांत रावता वा ल्हानाची व्हड जाला ताच्या काव्यांत हो सैम आपसूकपणान रीग घेता. पूण दरेका कवीमदीं आशिल्ली सैम रुची आनी ताणें भोगिल्लो काळ हातूंत वेगळेपण आसता. देखून तो सैमाचो घटक हाडटना तिका फकत सैमाची कविता म्हण छाप लावपूय चुकिचें आसता.

वातावरणांत, उदकांत, हवेंत वा अन्न पदार्थांत हानीकारक पदार्थ भरसून घेवपाची कृती म्हणल्यार प्रदर्शण. प्रदुर्शणाची समस्या दिसान दीस वाडत आसा. उद्देगीक कोयर, प्रदुर्शीत उदक, हवा हाचो वायट परिणाम पर्यावरणाचेर जाला. अशें आसून लेगीत लोक प्रदर्शणाक आनी ताच्या परिणामाक गंभीरतायेन घेनात. आता ह्या गजालींकडे दुर्लक्ष जालें जाल्यार आमच्या फुडल्या पिळगेक भोव त्रास जावं येतात. प्रदर्शण हो आयज एक बरोच गंभीर प्रश्न जाला. वाडत वचपी लोकसंख्या, झाडां कापप, उद्द्योगीक कोयर, संपात संपत्तीचो गैरवापर प्रदुर्शण भयानक वाडत संवसारभर वाडत आसा. अशा जायत्या कोयर, सैमीक संपत्तीचो गैरवापर अश्या जायत्या कारणांक लागून प्रदूर्शण आनी प्रदुर्शणाचो प्रश्न पुराय संवसारभर भयानकपणान वाडत आसा.

वायू प्रदुर्शण आनी मनीस संस्कृताय हांचो इतिहासीक काळासावन परस्पर संबंद आसा. इतिहासाच्या आदींच्या काळांत उज्याचो सोद  लागतकच मनीस उजो वापरपाक लागलो आनी तेन्ना सावन उजो सुरु जालो अशें म्हणूं येता. उपरांत मनशान धातू वितळपाक सुरवात केली आनी ताका लागून वायू प्रदुर्शणाची खूब वाड जाली. तेन्ना सावन प्रदुर्शण सतत वाडत आसा. संवसारांतल्या व्हड शारांनी लोकसंख्या वाडत  गेली तशी लाकूड आनी कोळशाचो इंधन म्हण वापर वाडत गेलो. उद्देगीक वाडीक लागून थळाव्या उदकामार्गांत प्रक्रिया नाशिल्लीं रसायनां आनी प्रदुर्शणां सोडटात. प्रदुर्शण हें मुखेलपणान रसायनीक पदार्थाच्या रुपांत

हवेंतलयान येवपी रसायनां आनी धुल्लकणांचो भरसण जावन हवेक प्रदुर्शण जाता. अभ्यारण्यांत प्रदर्शणां जातात, तीं म्हणल्यार उदकाचें प्रदुर्शण, प्लास्टीक प्रदुर्शण, आवाजाचें प्रदुर्शण.

### 5.6.1 प्लास्टीक प्रदुर्शण.

प्लास्टीक प्रदुर्शण म्हणल्यार धर्तरेच्या वातावरणांत प्लास्टीक वस्तू आनी कण वापरप. देखीक प्लास्टीक बाटल्यो, पोतयो, आनी ग्लास अशा तरेच्या वस्तूंचो मनशांचेर, रानवटी जनावरांचेर आनी तांच्या रावपाचे सुवातेर हांचो वायट परिणाम जाता. प्लास्टीक सवाय आनी टिकावू आशिल्ल्यान वेगवेगळ्या वापराखातीर खूब अनुकूल आसतात. आतां मनशाक दर फावटी प्लास्टीक लागता. प्लास्टीकाच्यो उदकाच्यो बाटल्यो, खाणाचें जिनस प्लास्टीक पिशव्यानी व्हरतात. जेवपाखातीर प्लास्टीक प्लेटस् आनी हेर जायत्या वापराखातीर प्लास्टीक वापरतात. हाका लागून पुराय अभयारण्य दुशीत जाता. प्लास्टीकाक लागून सुपीक जमीन इबाडटा. जनावरां तें उडयिल्लें प्लास्टीक खातात आनी ताचो वायट परिणाम तांच्या जिवाचेर जाता. लोक प्लास्टीक न्हंयत उडयतात ताका लागून नुस्त्याच्या जिवाचेर वायट परिणाम जाता. प्लास्टीक वापराक लागून पर्यावरण इबाडटा. म्हादय वाठारांत खूबशे लोक अभयारण्यातले सौंदर्य पळोवंक, न्हावपाक येतात तेन्ना प्लास्टीक वापरून पर्यावरण इबाडटा.

### 5.6.2 उदकाचें प्रदुर्शण.

म्हादय अभयारण्यांत कितल्योशोच न्हंयो, उपन्हंयो पळोवंक मेळटात. वझरे पळोवपाक लोकांची गर्दी पडटा. लोक उदकांत प्लास्टीक उडयतात मागीर तें प्लास्टीक उदकांतली नुस्तीं खातात आनी तीं मरतात. नुस्तें मारपाक उदकांत ब्लिचींग पावडर घालतात तेन्ना पुराय न्हंयचें उदक दुशीत जाता. तें उदक सकयल मनीस कपडे धुंवपाक, पिवपाक तशेंच जनावरां पिवपाक वापरतात. हाचो परिणाम तांकां वायट तरेन भोगचो पडटा. सोरो पिवून न्हंयत बाटल्यो फोडटात, रस्त्याच्या कुशींनी बाटल्यो उडयतात. ताची काच कोणाच्या पांयांक तोपूंक शकता. लोक न्हावपाक येतात आनी उदक दुशीत करतात.

### 5.6.3 झिलेटीन

नुस्तें मारपाच्यो वेगवेगळ्यो पद्दती आसात. तातूंतली एक पद्धत मेळटा ती झिलेटीन. झिलेटीन ही लोक न्हंयत घालतात. झिलेटीनाच्या आवाजान रानांतली जनावरां भितात. नुस्तें सगळें न्हंयचे मरून पडटा. ह्याच कारणाक लागून थंय मागीर नुस्तें वाडना, नुस्त्याचें खाण वाडना. आवाजान पशु-पक्ष्यांचेर आनी हेर सैमीक घटकांचेर वायट परिणाम जाता. उदक सगळें दुशीत जाता. झिलेटीन घालून लोक नुस्तें मारून खातात ते तांच्या जिवाक हानीकारक जावपाक शकता.

### 5.6.4 आवाज प्रदुर्शण.

रानांनी आवाज जालो जाल्ल्यार तांचो त्रास जनावरांक जाता. अभ्यारण्यांत रातचो कसल्याच प्रकारचो आवाज जावपाक जायना. अभ्यारण्यांत सैम भोंवडी करपाक कितलेशेच पर्यटक येतात. ध्वनी यंत्रणा वतना व्हरतात आनी मोठमोठ्यान रानांनी आवाज  करतात. आवाजाचो त्रास रानटी जनावरांक जाता. तीं भिवून लिपून रावतात.

# प्रकरण- सवें

# 6 समारोप आनी निश्कर्श.

## 6.1 समारोप

म्हज्या प्रबंदाच्या विशयाचे नांव आसा "म्हादय अभयारण्य वाठारांत रावपी लोकांमंदी उप्रासिल्ल्या समस्यांचो सामाजीक लोकसांस्कृतीक आनी पर्यावरणीय अभ्यास." ह्या प्रबंदांत म्हजी स प्रकरणां आसात.

ह्या म्हादय अभयारण्यांच्या वाठारांत साबार लोकवस्ती आसा. हे लोक फाटलीं शेंकड्यांनी वर्सा राबितो करून आसा. हे सगळे लोक सरभोंवतणच्या रानांचेर अवलंबून आसात. आपले जिविके खातीर ह्या रानांचो ते उपेग करतात. आदल्या काळार कुमेर शेतां करपाची हांगां चाल आशिल्ली. रानां तोडून ते ह्या रान वाठारांत नाचण्याचीं शेतां मोठे प्रमाणाः त कसयताले. ताचे भायर तोराप, मुठलो, सर्यो हीं शेतांय ते कसताले. आतांच्या काळांत थळाव्या लोकांनी आपल्या दोंगर परिसरांत काजूंची लागवड केल्ली आसा.

म्हादय अभयारण्यातलो परिसर रानसंप्पतेन आनी जिवसंपत्तेक लागून गिरेस्त आसा. थळावे लोक मिरयां, आंवाळे, हड्डे, शेळो, घरवेली, बेतां, केळीचे खोले, चवथीक माटोळेचें सामान, वखदां तशेंच हेर वस्तू हाडपाक रानांत वयताले.

पावसाच्या दिसानी कुल्ल्यो आनी माशे धरपाकूय लोक रानांत वयताले. ह्या गजालींक लागून रान  हें तांच्या उपजिवेकेचे साधन आशिल्लें.

म्हादय अभयारण्यांत रावपी लोकांचीं देवथळां आसात. विवीध परबो आनी उत्सवाच्या वेळार ह्या देवथळांनी पारंपीक विधी ते करतात. तांच्या थळाव्या चाली रिती प्रमाण तें थंय पुजा अर्चा करतात. होळी उत्सवाच्या वेळार ते रानांत वचून होळी हाडटात. रानांत देवाचे कळस दवरपाचीय परंपरा हांगां आसा. उत्सवाच्या वेळार रानांत वचून तें कळस गांवच्या देवळांत हाडपाची परंपरा आसा. गांवांतली परंपरा राखताना थंय वचून होळी घालपाची चाल आसा. आदल्या काळार देवाची भोंवडी काडपाचीय पद्दत आशिल्ली. सावज मारून देवाक लावपाची चाल हालीं मेरेन आशिल्ली. गोवाळली ह्या गांवांतले लोक रान थळार वचून भगूत करपाची चाल आसा.

म्हादय हो वाठार 1999 ह्या वर्सा म्हादय अभयारण्य म्हण घोशीत केल्ल्यान रानान मुक्तपणान भोंवपाक बंदी आसा. अभयारण्या अंतर्गत येवपी कायद्यांक लागून थळाव्या लोकांक रान  परकें जालां. आपले उपजिविकेक लागपी गरजेच्यो वस्तू हाडप हें कायद्याचे उल्लघन जाता. रानांत हत्यार व्हरप ना, उजो घालप ना, प्राण्यांक मारप ना. झाड तोडप ना. म्होंव काडप ना. कुल्ल्यो वा नुस्तें धरप ना. अशे साबार कायदे लागू जाल्ल्यान सर्वसामान्य मनश्याचे जिवन अडचणीत

आयलां. आपल्या रानांत आपणाकूच भौंवपाक मेळना. रानाचो उपभोग घेवपाक मेळना असो समज थळाव्या लोकांचो जाला. रान वाठरांतल्या जमनीत काजूंची लागवड केल्ल्यान रानखात्याचो ताका सक्त विरोध आसा. ह्या सगळ्या खातीर ह्या वाठारांनी  रावपी लोक ह्या म्हादय अभयारण्याक विरोध करताना दिसतात.

वयर उल्लेख केल्ले प्रस्न दिसान दीस गहन जाल्ल्यान थळावे लोक प्रतिकार करपाक लागल्यात. रानखात्यांच्या कर्मचाऱ्यांक तें अभयारण्यांत येवपा पासून आडावपाक लागल्यात. रान खातें आनी थळावे लोक असो उबो संघर्श जाताना दिश्टी पडटा. ह्या परिसरांतल्या वागांक संरक्षण मेळचें म्हण आतां म्हादय अभयारण्यातलो परिसर हो वाग्रप्रकल्प म्हण घोशीत करचो आशी पर्यावरण वाद्यांची मागणी आसा. हे गजालीक लागून थळाव्या लोकांमदीं असंतोश वाडला. हे खातीर लोक आतां लोकांची भुमिका घेवन रस्त्यार येवपाक लागल्यात. बसका आनी सभा घेवन जागृती करपाक लागल्यात. लाकांचे नदरेन थळाव्या लोकांच्यो समस्या संख्येन चड आसल्यो तरी पर्यावरणाचोय प्रस्न तितलोच गंभीर आसा.

रान हें फक्त मनश्या खातीर नासून हेर जिवाळीचोय ताचेर तितलोच आधिकार आसा. अभयारण्याची राखीव सुवात ही रानी तल्या जिवाळी खातीर राखून दवरिल्ली आसा. तांकां मुक्तपणान भयाविरयत भौंवपाक  मेळचें हें ताचे फाटलें मुखेल कारण आसा. जमीन, जंगल आनी जल ह्या तीन मुखेल घटकांचे संवर्धन जावचें होवूय मुखेल हेतू लक्षांत दवरपा सारको आसा.

वयले समस्येक लागून आनी हे सगळे प्रक्रियेत पर्यावरण प्रेमी, सरकार आनी म्हादय अभयारण्यांतले थळावे लोक असो संघर्श वाडपाची शक्यता उप्रासल्या. ह्या प्रस्नांच्यो जाप सोदपाचे नदरेन आनी तातूंत आशिल्लीं तथ्यां जाणून घेवपाक हो म्हजो सोद वावर मदत करतलो. तशेंच तातूंतल्यान मेळपी जापेतल्यान ह्या प्रस्नाचेर तोडगो काडपाक मदत जातली.

पयल्या प्रकरणांत जाणकारांनी, अभ्यासकांनी दिल्ली अभयारण्याची व्याख्या मांडल्या. तांच्या नदरेंत अभयारण्य म्हळ्यार कितें? तें मांडला. तशेंच अभयारण्य करपा फाटली संकल्पना कितें उद्देश कितें, अभ्यारण्यांत कसल्यो सुविधा आसात जैवीक संपत्तीक लागून अभयारण्याचें म्हत्व कितें आसा हैं मांडला. अभयारण्य जालें म्हूण रानां, वझरे, जनावरां, किडी, मुयों, दोंगर, फळां, फुलां, पक्षी, वखदी झाडां, वेली, उदक सगळे आसा ना जाल्यार हैं सगळे केन्ना ना जाता आसलें. अभयारण्याचे कायदे कितें आसात, खंयचो कायदो किर्तें सांगता, कोणाक कायदो लागता, कायदो तोडलो जाल्यार कितें जाता हैं ह्या प्रकरणांत सांगला.

दुसऱ्या प्रकरणांत गोंयांत कितलीं अभयारण्या आसात आनी तांचो कितलो वाठार आसा तें मांडला. अभयारण्याची निर्मिती कशी जाली, अभयारण्याची पुराय वाठार कितलो आसा तो मांडला. म्हादय अभयारण्याचें वेगळे खाशेलपण कितें आसा,

अभ्यारण्यांत भितर कितें पळोवंक मेळटा, बाकीच्या अभयारण्यापरस म्हादय अभ्यारण्यांत वेगळें कितें खाशेलपण आसा तें मांडला.

तिसऱ्या प्रकरणांत म्हादय वठारांत जे गांव येतात त्या गांवांत रावपी लोकांच्यो कितें समस्या आसात ताचेर भाश्य केला. समस्यांक लागून लोकांक कसल्यो.अडचणी येतात, कसले त्रास सहन करचे पडटा, लोकांच्या मुखार कसल्यो सामाजीक समस्या आयल्यात ताचेर विस्तारान मांडला. तशेंच लोक गांवांनी संस्कृतीक गजाली, परबो, सण, उत्सव मनयता. हे लोकसंस्कृतीक गजालीक लागून लोकांक अभयारण्याचो कसलो त्रास जाता, कसल्यो गजाली ज्यो पिळग्यान पिळगी चलत आयिल्ल्यो तांकां करपाक बंधना येतात तें मांडला. समस्या म्हणटा तेन्ना राजकीय लोकांच्या मुखार कसल्यो समस्या येतात, लोकांक लागून तांकां कितंय करपाक कित्याक मेळना हाचो उल्लेख केला. लोकांच्यो अभयारण्यातल्यो आर्थिक समस्या मांडल्यात. आर्थीक मदत कित्याक मेळना, लोकांक अभयारण्य नासलें तेन्ना कशे पयशे मेळटाले. कशें लोकांचे घर चलतालें हें मांडला. लोकांच्यो शेता संदर्भात कितें समस्या आसा, जमनीच्यो समस्या, घरांच्यो समस्या, वाटी आनी रस्ते हांच्यो समस्या किर्ते कितें आसात आनी ताचेर उपाय कितें तें मांडला.

चवथ्या प्रकरणांत म्हादय अभयारण्यातल्या वाठारांत लोकांक लागून पर्यावरणाक कितें त्रास जाता ते मांडला. तांच्यो वेगवेगळ्यो समस्या आसात. देखीक, झाडांची

कापणीचे न रानांक लागयी उजो, अभ्यारण्यांत लोकांची मुक्त भोवडी, खाणीचें उत्खन्न, जैवीक संपत्तीची शिकार, प्रदुशण ह्या समस्यांचेर विस्तारान भाश्य केला. कशे तरेन, कित्याक लागून ह्यो गजाली घडटात हाचेर भाश्य केला. अभ्यारण्यांत कितल्या तरेची प्रदुशणा जातात ते मांडला. शेवटाक समारोप आनी निश्कर्श मांडला.

ह्या प्रबंदातल्यान म्हाका खूब कितें शिकपाक मेळ्ळया. भायल्ल्यान झाडां पेडां आनी रानांनी घरां पळोवपाक बरीं दिसता. थंड वातावरण बरें आसता, पूण थळाव्या लोकांक असल्याच कांय समस्यांक तोंड दिवचें पडटा हैं अभ्यास करतकच कळ्ळें. अभयारण्य कित्याक केला ताचो कितें फायदो हाचो अभ्यास जालो.

## 6.2 निश्कर्श

- अभयारण्याचो मुख्य उद्‌देश सैमीक घटकाकं जगपाक मुक्त सुवात दिवप.
- अभयारण्याक लागून पर्यावरणांतली जैव विविधताय तिगोवन दवरपाक मदत जाता.
- म्हादय अभयारण्य वाठारांत रावपी थळाव्या लोकांच्यो कितें समस्या आसात. त्यो जाणवता. तातूंतल्यान त्यो सुटाव्यो जावच्यो म्हूण कायद्‌यान फावो ते बदल करप गरजेचें.
- पर्यटन संदर्भात उदरगत करतना पयलीं थळाव्या लोकांक थंय आशिल्ल्या गजालींचो पर्यटन दृश्टीतल्यान चड फायदो जावचो. .
- अभयारण्यांतल्या सरभोंवतणीचे लोक शेती वेवसायाचेर चड अवलंबून आसता, हाका लागून शेती आनी हेर उपक्रम तिगोवन दवरप गरजेचें.
- जनावरांची शिकार ह्या बाबतींत पयलीं परस आतां खूब उणी जाल्या. कायदे आनीक कडक करीत जाल्यार येणाऱ्या काळांत ती बंद जांव येता.
- अभयारण्या संदर्भात रानखात्याचे जे कायदे आसात ते खरपणान पाळीत जाल्यार अभयारण्याचे सरभोंवतणी रावपी लोकां खातीर कठीण जातलें.
- तांच्यो एक सामाजीक, लोकसंस्कृतीक गजाली ह्या अभयारण्याकडे निगडीत आसात.

- लोकांचे आर्थीक येणावळी संदर्भात कांय गजालींचो अभ्यास केलो जाल्यार अशें दिसता की थारावीक वेळार लोकांक अभयारण्यांत वचपाक मेकळीक मेळची.
- लोकांच्या जमनीच्या हक्का संदर्भात तांकां जर न्याय मेळटलो जाल्यार कायदयान फावो त्यो गजाली करप गरजेचें. ना तर ह्या थळाव्या लोकांचे प्रस्न घुस्पत वतले.
- म्हज्या अभ्यासा प्रमाण माका दिसता जशी पयली जनावरांची शिकार जाताली ती आता कमी जाल्या. बाजारांत जायतें मेळपाक लागला.
- लोकांनी आनी अभ्यारण्यांतल्या लोकांनी एकठाय येवन उलोवप गरजेचें आसा.
- लोकांचो समस्या समजून घेवन कायदयान बदल हाडप गरजेचें आसा.

**परिशिश्टः 1   गोंयची◌ं अभयारण्यां.**

| **सं.** | **अभयारण्यां** | **चौ.कि.** |
|---|---|---|
| 1 | भगवान महावीर अभयारण्य (सांगे) | 1. 240.00 चौ.कि. |
| 2 | खोतीगांव अभयारण्य (काणकोण) | 2. 95.59. चौ. कि |
| 3 | म्हादय अभयारण्य (सत्तरी) | 3. 208.48 चौ. कि |
| 4 | बोंडला अभ्यारण्य (फोंडा) | 4. 8.00 चौ. कि |
| 5 | सलीम अली पक्षी अभयारण्य (तिसवाडी) | 5. 1.78 चौ. कि. |
| 7 | नेत्रावळी अभयारण्य (सांगे) | 6. 211.05 चौ.कि. |

## परिशिश्ट:2 म्हादय अभयारण्यांतल्या रानवटी जनावरांची आनी सुकण्यांची नांवां

| रानवटी जनावरां | सुकणीं |
|---|---|
| सोसो | कावळो |
| पिसय | रायपातकी |
| काटांदर | घुबड |
| भेकरें | रान कोंबो |
| मुंगूस | कोगूळ |
| शिंगाडी | कोकाद्रें |
| साळ | बकें |
| वनमाणूस | धार |
| वाघ | गिडगें |
| दुकर | कुडव |
| गवा रेडो | मोर |
| गार | कीर |
| वांदर | गरूड |
| चानी | भिमुरटो |
| खेतें | पांखो |
| अस्वल | घूब |
| वागाटी | पिटकोळी |
| शेंकरो | रातोळे |
| चिताळ | |
| मेरूं | |
| कोलो | |
| पिसय | |
| जवादें | |

## परिशिश्टः 3 मुलाखत घेतिल्ल्यांची नांवां

1) निर्मल कुलकर्णी हांची मुलाखत केरी सत्तरी हांगा घेतली.
2) राजेंद्र केरकार हांची मुलाखत तांच्या घरा केरी हांगां घेतली.
3) ॲड. गणपत गांवकार हांची मुलाखत तांच्या कार्यालयांत वाळपय हांगां घेतली.
4) परेश परब हांची मुलाखत पणजी हांगा तांच्या कार्यालयांत घेतली.
5) गिरीश बैलुडकार हांची मुलाखत म्हादय अभयारण्याच्या कार्यालयात माळोली हांगा घेतली .
6) डॉ. गणेश मर्गज हांकां फोन करून तांची मुलाखत घेतली.
7) नकुळ धावस्कर हांची मुलाखत साखळी हांगा घेतली.
8) गोपीनाथ गांवस हांची मुलाखत होंडा सत्तरी हांगा घेतली.
9) बाळा नायक हांची मुलाखत काजरेघाट हांगा घेतली .
10) लाडको कुडतरकार हांची मुलाखत नानोडा हांगा घेतली.
11) हरिचंद्र गांवस हांची मुलाखत वेळूस हांगा घेतली.
12) दिनेश सावंत हांची मुलाखत कोपर्डे हांगां घेतली.
13) अर्जुन गावडे हांची मुलाखत करंजोळ हांगा घेतली.
14) महादेव गांवकार हांची मुलाखत माळोली हांगा घेतली.
15) दामोदर गांवकार हांची मुलाखत हिवरें हांगा घेतली .
16) बारकेलो गांवकार हांची मुलाखत वायगिणी हांगा घेतली.

## परिशिश्ट: 4 म्हादय अभयारण्यांत आस्पावीत जाल्ले पंचायती आनी गांव

| पंचायती | गांव |
|---|---|
| 1) खोतोडा | सुरुंगुली, शिरसोडे, असोडें, गवाणें, वेळगें, गोमळ. |
| 2) ठाणे | चरावणें, हिवरें बुद्रुक, गोळावली, सुर्ला, रिवें, दोगुर्ली, ठाणें |
| 3) नगरगांव | माळोली, वांयगिणी, कोदाळ, देरोडे, साट्रें, ब्रम्ह करमळी, शिगणें, उस्तें, नानोडें |
| 4) सावड्डे | करंजोळ, कुमठळ, काजरेधार, कडवळ, सावड्डे, करमळी, बंदीरवाडो, सोनाळ, शीर |
| 5) म्हावशी | झर्मे, कोपाड्डें, नागवें, दाबें |

## परिशिश्ट: 6

# परिशिश्ट: 7

**परिशिश्टः ४**

परिशिश्ट: 9

## परिशिश्ट: 10